

माणकां मोतयां

नरेंद्र काशिनाथ कामत

Acc. No: 895
1228
Stories-7 Aw
NAR

माणकां-मोतयां

(भुरग्यांखातीर काणयों)

नरेंद्र काशिनाथ कामत

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
विश्व कोंकणी पुस्तकालय
Acc. No.: 895

बिम्ब

प्रकाशन

माणकां-मोतयां

बालसाहित्य

नरेंद्र काशिनाथ कामत

Mann'kam - Motyam

(Children's Stories)

Narendra Kashinath Kamat

प्रकाशन क्र..27

© नरेंद्र काशिनाथ कामत

पयली आवृत्ती
आगस्ट 2004

छापणावळ
इम्प्रेशन्स
बी-2, 'अक्षर आर्केड'
3360/4, गोंधळी गल्ली,
बेळगांव - 590 002

अक्षर जुळणी
बिम्ब प्रकाशन

दर्शनी चित्र
गिरिश नंदा बोरकार

प्रकाशक
दिलीप बोरकार
बिम्ब प्रकाशन
जी. एस. बी. 3,
हावसिंग बोर्ड कॉलनी,
पर्वरी - गोंय

मोल : 40/-

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या बालसाहित्य प्रकाशन अर्थिक पालव येवजणेखाला छापलां.

A, NAR 'P04

WORLD KONKANI CENTRE

A.N. 828

1228
Stories
NAR

संवसारांतल्या कांय म्हान लेखकांच्या स गाजिल्ल्या नवलिकांची ही वळख खासा भुरग्यांखातीर करून दिल्ली आसा.

- नरेंद्र काशिनाथ कामत

विश्व कोंकणी: ग्रंथालय • WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
895

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001228

गुन्यांव आनी ख्यास्त

गुन्यांव केन्नाच लिपून उरना आनी तो करतल्याच्या नशिबांतली ख्यास्तूय केन्ना चुकना. कायद्याच्या कचाट्यांतल्यान सुटलो जाल्यारय ताचें मन ताका तो गुन्यांव भोगशिनां. तें ताका भितल्ल्यान पोखरीत रावता. आनी ताच्या जिवाक कशीच स्वस्तताय मेळूंक दिना. ताचें चित्त मागीर थीर उरनां. ताका जेवण खाण रूचनां. न्हीद सारकी पडनां. आपलो गुन्यांव जेन्ना तो ओकता आनी ख्यास्तीक फुडार करता, तेन्नाच ताची ते अपदेंतल्यान सोडणूक जाता.

संवसारांतलो एक नामनेचो रशियन नवलिकाकार 'पेत्रोद दास्तोयोवस्की' हांणी आपल्या 'क्राइम अँड पनीशमेंट' हे गाजिल्ले नवलिकेंत हो विचार बरे तरेन मांडला.

'क्राइम अँड पनीशमेंट' हो नवलिकेचो नायक आसा रास्कोलनिकोव नांवाचो एक शिकपी भुरगो. परिस्थितीन सामको गरीब. बापूय मेल्ल्यान संवसाराचो सगळो भार ताच्या माथ्यार पडला. तो, आवय आनी दुनिया नांवाची एक भयण. अशें तिगांजाणांचें तांचें कुटूंब. पूण तें ल्हानशें कुटूंब लेगीत ताका पोसपाक जड वता. फाट घेतिल्ल्या दळदिराक लागून निमणें तो सामको बेजारता आनी एक दीस न्हय तो अविचार करून बसता. त्याच गांवांत रावपी दोगां म्हाताऱ्या भयणींचो तो कुराडीचे

घाव घालून खून करता.

त्यो भयणी गांवांत कळंतराचो धंदो करताल्यो. लोकांक भागरांच्या वस्तीचेर त्यो रीण दिताल्यो. दोळे दिपकावपी हळडुळ्या रंगाचे भांगराचे अळंकार त्यो आपल्या पेटलांत बाळगिताल्यो. ते अळंकारूच निमणे तांच्या मरणाक कारण जाले.

म्हाताऱ्यांच्या घरचे भांगराचे अळंकार पळोवन रास्कोलनिकोवाचो जीव सामको वयर सकल जातालो. ताच्या तोंडाक उदक सुट्टालें. एक दीस संद सादून ताणें त्या दोगांय भयणींक जिव्यो मारल्यो आनी तांच्या घरच्यो भांगराच्यो वस्ती हाडून दारामुखावयल्या आंगणांत पुरून दवरल्यो.

तें काळें कर्तुप करतना ताणें आपलें काळीज फातराभाशेन घट्ट केल्लें. तो मात्तूय भियेवंक नाशिल्लो. न्हय, ताका इल्लेंय वायट दिसूंक नाशिल्लें. रगतान भरिल्ली कुराड ताणें कोणाक मेळचिना अशा जाग्यार लिपयली आनी आंगावयले कपडे फोंडकूल काडून पुरले. आपणें खून केला अशें दिसपासारको कसलोच पुरावो ताणें थंय सोडलोना.

पूण सगळें काम सोंपोवन तो जेन्ना घराकडें आयलो, तेन्ना ताचे तकलेंत केल्ल्या खुनाविशींचे विचार घोळूंक लागले आनी ताची धिटाय इल्ली इल्ली उणी जावंक लागली. ताका थरथरो भल्लो. ताची तकली जड जाली. जेवी नासतना उपाशी पोटानूच मागीर तो वारांदावेल्या बांकड्याचेर लवंडलो.

जसो जसो तो खुनाविशीं येवजितालो तशी तशी ताच्या मनाची तळमळ वाडटाली. तसले अवतिकायेंत आसतनाच ताका पोलिसेंतल्यान आपोवणें आयलें. पोलिसांक आपल्या दारांत पळोवन ताका कच्च जालें. आपणें केल्लें काळें कर्तूब उक्तें जालें अशें ताका दिसलें. म्हाताऱ्याक कोणें माल्ल्यान तें पोलिसांक कळलां जातलें आनी त्याचखातीर आपणाक पोस्तार आपयला आसतलो असो विचार ताचे तकलेंत आयलो आनी ताच्या दोळ्यांफुडें भयान काळोख आयलो. आपली झीट वतली अशें ताका दिसलें. नज जाता करून तो पोलिसांबरोबर पोस्तार गेलो.

तो थंय पावलो तेन्ना थंयच्या एका बांकार तागेल्या घराची धनीण बशिल्ली पळोवन ताका अजाप जालें.

आपणाक खूप तेंप मेरेन घराचें भाडें दिवंक ना म्हणून, ताची कागाळ करूंक ती पोस्तार आयिल्ली. पोलिसांनी जेन्ना ताका धनिणीक देणें आशिल्ल्या भाड्याविशीं विचारलें तेन्ना तकली जाग्यार नाशिल्ल्यान तो कांयचेकाय जापो दिवंक लागलो. अर्थ नाशिल्ल्यो तागेल्यो त्यो

जापो आयकून पोलिस इन्सपेक्टर त्रोफियो गोंदळांत पडलो. हो अश्यो कांयचे कांय जापो दिता. त्या हिसबान हाची तकली जाग्यार ना अशें जावपाक कितें कारण आसतलें? हाच्या हातांन कसलो गुन्यांव बी घडूंक ना मूं? असो तांच्या अणभवी मनांक दुबाव पडलो.

देणें आशिल्लें सगळें भाडें रोकडेंच दितां अशी पोलिसांमुखार धनिणीची मानतूक करून, रास्कोलनिकोव घराकडे आयलो. एका व्हडल्या संकष्टांतल्यान वाटावलों अशें म्हणून ताणें एक उस्कारो सोडलो. पूण ताची खोस खीणभरूच तिगली. ताचें गुन्यांवकारी मन ताका परतून तोंचूंक लागलें. तो खुनाविशीं येवजूंक लागलो. घराकडे येवन तो हातरूणाचेर पडलो, तेन्ना ताचें आंग जोरान भाजतालें. जोर चडूंक लागलो तसो ताका भ्रम जालो. त्या भ्रमांत तो खुनाविशीं उलोवंक लागलो. तें आयकून आवयक आनी दुनियाक मोठेंच अजाप जालें. तो कितें उलयता

तें तांकां कळना जालें. घरच्या वखदांनी गूण आयलोना तसो तांणीं डॉक्टराक हाडलो.

रास्कोलनिकोव जेन्ना हातरूणार जोरान फडफडटालो तेन्ना गांवांत म्हाताऱ्यांच्या दोट्टी खुनाची वासपूस चलताली. पोलिस हे वटेन ते वटेन धांवताले. ते रास्कोलनिकोवागेर आयले त्या वेळार तो जोराच्या भ्रमांत बडबडटालो. तातूंत खुनाविशीं थोडीं उतरां आसतालीं. तीं आयतकच खुनाविशीं ताका जाणविकाय आसूंक जाय, अशें पोलिसांक दिसलें. पूण त्या वेळार ताचेकडे उलवपासारकें नाशिल्ल्यान ते परते गेले. थोड्या दिसांनी रास्कोलनिकोवाचो जोर गेलो आनी तो भोवूंक लागलो. पूण ताची मनस्थिती मात सुदारलीना. पयलीं परस ती वायटूच जाली. तो मेळत थंय खुनाविशींच उलयतालो. तें पोलिसांच्या कानार पावतकच, ताचेविशीचो तांचो दुबाव चड वाडटालो आनी ते चड खोलायेन वासपूस करताले. पूण तो तांकां दाद दिनाशिल्लो.

एक दीस गांवांतलो लुईझीन नांवाचो एक गिरेस्त मनीस आपल्या घराकडे येतना ताका दिसलो. आपली भयण ताचेकडे लग्न जावंक सोदता, आनी ती मोगाक लागून न्हय जाल्यार, तो पयशेकार म्हणून, ही गजाल ताका निखालस आवडूंक नाशिल्ली. लुईझीन दुश्ट मनीस म्हणून ताका तो नाका आशिल्लो. ताणें ताका तोंडारूच गाळी मारल्यो आनी आपणागेर येवपाक बंदी केली.

लुईझीन रागान पांय आपटीत थंयसून गेलो. पूण वतना, हाका आपूण बुद्द शिकयल्याबगर रावचोना असो मनांत सोपूत घेवपाक तो विसरलोना.

रास्कोलनिकोवाची अवतीकाय दिशीं दिशीं चडूच वायट जाताली. ताका आपल्या आवय आनी भयणी फुड्यांत रावप कठीण जावंक लागलें. आपलो एक बरें मागपी इश्ट राझुमीन हाचे सुवादीन ताणें दोगांकय

केल्यां, आनी तो वेगळो रावूंक लागलो.

पोलिस इन्स्पॅक्टर त्रोफिम्यां मधीं मधीं ताका मेळटालो आनी खुनाविशीं विचारतालो. ताच्या प्रश्नांक जाप दितना तो गोंधळटालो. ताणेंच खून केल्यात म्हणपाची त्रोफिमोची खात्री जाली. पूण ताचे विरूध्द कांयच पुरावो नाशिल्ल्यान तो ताका बंदी करूंक शकनाशिल्लो. तूं तुजो गुन्यांव मानून घे. तूं एक मनोरूग्ण आसा अशी हांव कोर्टांत गवाय दितां आनी तुका उण्यांत उणी ख्यास्त जावंची म्हणून खटपट करतां अशें तो ताका परतून परतून सांगतालो. पूण आपणें खून करूंक ना आनी आपणाक खुनाविशीं किदेंच खबर ना ह्याच उतरांचेर रास्कोलनिकोव अडून बशिल्लो.

राझुमीन दुनियाक आनी तिचे आवयक बरी वागणूक दितालो. तांकां वेळार खाण-जेवण दितालो. ताका लागून दुनियाक ताजेविशीं ओड दिसूंक लागली आनी थोड्या दिसांनी तांचो एकामेकांचेर मोग जावन ताणीं लग्न जावपाचें थारायलें.

एक दीस एक पयसुल्लो मनीस, दुनियाक सोदीत त्या गांवांत आयलो. कांय वर्सां फाटीं दुनिया तागेर कामाक आशिल्ली. त्यावेळार ताणें बायलेचे सांगणेन तिका खूप कश्ट दिल्ले. पूण जेन्ना ताची बायल हातरूणार पडून मरूंक तेंकली तेन्ना तिणें खरी गजाल ताका सांगिल्ली. आपले करणेचो पच्छाताप जावन, पानवळ घेवपाखातीर तो दुनियाक सोदूंक आयिल्लो.

दुनिया मेळटकच तांणें तिची चूक मागली आनी एक पयशाची पोटली तिजे सुवादीन करून तो घरा गेलो.

ते पयशे मेळ्ळें तसो दुनियान राझुमिनाच्या आदारान गांवांत एक छापखानो उगडलो. रास्कोलनिकोवानय आपणाल्या धंद्यात भागी जावंचो म्हणून त्या दोगांनीय ताका आग्रो केलो पूण ताणें ते गजालीक न्हयकार

दिलो.

रास्कोलनिकोवाच्यान आतां त्या गांवांत लेगीत रावूंक नज जालें. ताका जेवण गोड लागना जालें आनी न्हीद पडना जाली. दोळे धांपले म्हणटकच ताणें खून केल्ल्यो तो दोनूय भयणी ताच्या धाकिल्ल्या दोळ्यांमुखार उब्यो रावताल्यो आनी आमी तुजो कितें गुन्यांव केल्लो म्हणून तुवें आमकां मरणाची ख्यास्त केली अशी जाप विचारताल्यो. सामकी पिशाभाशेन अवर्ताकाय जाली तसो ताणें तो गांव सोडलो आनी आपल्या एका पोन्ने इश्टिणीच्या गांवांक गेलो.

ताची इश्टीण सोनिया ही एक नृत्यांगना आशिल्ली. ती सभावान भोव बरी आशिल्ली. तिचो देवाचेर भावार्त आशिल्लो. ती धर्मग्रंथ वाचताली. पूजापाठ करताली. तिचे संगतींत तोय बायबल वाचूंक लागलो. ताच्या मनाक तिजे संगतींत शांतताय मेळूंक लागली. बायबल वाचिल्ल्यान ताचें पातकी मन नितळ जावंक लागलें. आपल्या हातान घडिल्ली ती वायट गजाल तिका सांगची आनी मन मोकळें करचें अशें ताका दिसूंक लागलें.

एक दीस ताणें मनाचो निश्चेव केलो आनी दोगां म्हाताऱ्यांचो आपणे खून केल्ल्याची गजाल तिका सांगली. तिणें ती शांततायेन आयकून घेतली. ताका तिणें एकूय वायट उतर केलेंना. वयल्यान, केल्लें पातक ओकलें म्हणून खोसूच परगटायली. पूण ताज्या वायट नशिबान तेच रातीकडेन सोनियागेर राबित्याक आयिल्ल्या लुईझिनान ती गजाल चोरून आयकली.

रास्कोलनिकोवालें गुपीत आपणाक कळ्ळें म्हणून त्या दुश्ट मनशाक भोवच खोशी जाली. रास्कोलनिकोवाक लागूनच आपलें लग्न दुनियाकडे जावंक पावलेंना हो ताका राग आशिल्लो. आतां तागेलें गुपीत पोलिसांक सांगपाचो भंय घालून दुनियाक आपणाकडे लग्न जावपाक लावपाचीं



तो सपनां पळोवंक लागलो.

एक दीस दुनियाक मेळून रास्कोलनिकोवालें गुर्पीत ताणें तिका सांगलें आनी तूं म्हजेकडेन लग्न करिना जाल्यार हांव तें गुर्पीत पोलिसांक सांगतलों असो तिका भंय घालो. पूण दुनियान ताका फाफडून उडयलो आनी त्या दिसाच्यान ती ताचो चडूच द्वेश करूंक लागली. तिका पेचांत उडोवपाक ताणें आनी एक रांतेर मांडलो.

एक दीस ती एका नाचाक गेल्लेकडेन ताणें आपलो पयशांचो बोटवो तिच्या पर्शीत धुकळलो आनी तिणें आपले पयशे चोरले म्हणपाचो बोबाळ केलो. पूण ताच्या फुटक्या नाशिबांन तागेलें तें कर्तुब थंयचे एके बायलेन पळेल्लें. तिणें खरी गजाल लोकांक सांगली तशी लोकांनी ताकाच हुश्शो घाल्यो. तोंड काळें करून तो थंयसून गेलो.

सोनियाचे बरे संगतीन रास्कोलनिकोव खूप सुदारलेलो. केल्लो

गुन्यांव पोलिसांमुखार वदपाक, आनी केल्ल्या गुन्यांवाखातीर पानवळ घेवपाक तिणें आपल्या गोडयेच्या उतरांनी ताका तयार केलो. तशें केल्ल्यान ताज्या मनाक शांतताय मेळटली आनी थोडीशी ख्यास्त भोगची पडली जाल्यारय देवाघरा ताका गुन्यांव माफ जातलो असो तिणें ताका उपदेश केलो.

सोनियाच्या उतरांनी ताका धिटाय आयली आनी आपूण जावन तो पोलीस थाण्यार गेलो. आपलो गुन्यांव तो थंय पोलिसांमुखार वदलो. पोलीस इन्स्पेक्टर त्रोफियान ताका दिल्लें उतर खरें केलें. तो मनोरूग्ण आशिल्ल्याची ताणें कोर्टांत गवाय दिली आनी ताका उण्यांत उणी ख्यास्त दिवंची अशें कोर्टाकडेन मागलें.

रास्कोलनिकोवाक आठ वर्सांची बंदखणीची ख्यास्त जाली. ती भोगपाक ताका सैबेरियांत धाडलो. ताच्या फाटोफाट सोनियाय थंय गेली. बंदखणीचे भायर एक ल्हानशें घर तिणें भाड्यान घेतलें आनी थंय ती रावूंक लागली. बंदखणींतल्या बंद्यांची ती सेवा करताली. तांकां कितें जाय नाका तें पळेताली. तांकां बरें ना जालें जाल्यार वखद पाणी करताली. सगळे बंदी आनी बंदखणीचो राखणदार लेगीत तिका सोनियामांय म्हणटाले.

आठ वर्सांची बंदखण सोंपोवन रास्कोलनिकोव जेन्ना भायर आयलो तेन्ना बंदखणीचे भायर सोनिया ताची वाट पळेताली. तो दिसलो तशी ती ताच्या म्हऱ्यांत धावली आनी तिणें ताका घट्ट वेंग माल्ली. दोगांच्याय दोळ्यांतल्यान दुकां व्हावूंक लागलीं.

केल्ल्या गुन्यांवाखातीर पानवळ घेतिल्ल्यान रास्कोलनिकोवाचें मन आतां उदकाभशेन नितळ जाल्लें.

***

अदृश्य मनीस

एच. जी. वेल्स हांच्यो नवलिका अद्भुत आनी रहस्यांनी भरिल्ल्यो आसात. तांची 'इनव्हिजीबल मॅन' हिवूय एक तरेतरेची मुग्ध आनी चमत्कारीक अशी नवलिका आसा. ती कल्पनेचेर आदारिल्ली आसली जाल्यारूय लेखकाच्या बरोवपाचे शैलीक लागून आपूण एक खऱ्यारीच घडिल्ली गजाल वाचतां अशें वाचप्याक दिसल्ले बगर रावना.

शियांचे दीस आशिल्ले आनी भायर आकांताचो बर्फ पडटालो. पूण त्या बर्फाची पर्वा करिनासतना एक अनवळखी पावणो 'ब्रम्बल हर्ट' स्टेशनाचेर देंवून नीट गांवांत आयलो आनी इपींगच्या 'कॉच अॅन्ड हॉर्सेस' खानावळीच्या मॅनेजरामुखार उबो रावलो.

ताच्या ओंठाचेर बोटभर लांबायेच्यो मिशो आशिल्ल्यो. ताणें दोळ्यांक काळें वक्ल लायिल्लें आनी ताच्या हातांत एक बॅग आशिल्लें.

मॅनेजराकडे ताणें आपणाक रावपाक एक कूड मागली. मॅनेजरान ताका चोपडेंत ताचें नांव आनी घरचो पत्तो बरोवंक लायलो. ताणें ते चोपडेंत आपल्या गिचमिड्या अक्षरांत जें कितें बरयलें ते मॅनेजराकूच न्हय जाल्यार ताचें ताका लेगीत वाचूंक येवंचें नाशिल्लें. पूण तागेलीं ऐट पळोवन मॅनेजरान चड किटकीट करिनासतना ताच्या हातांत माळयेवयले एके कुडीची चावी दवल्ली.

बॅग सांबाळीत माळयेर वतना पावण्यान आपलें जेवण आपले कुर्डींत धाडपाक सांगलें. जेवणाचो थाळो घेवन वाडटली जेन्ना तागेले कुर्डींत गेली तेन्ना तो आपले तकलेक एक व्हडलें बँडेज गुठलायतालो. वाडटली दिसनाफुडें ताणें आपलें तोंड बेगीबेगीन त्या बँडेजांत लिपयलें. तागेली ती विचित्र करणी पळोवन वाडटलेक अजाप दिसलें. पूण कांयच उलयनासतना ती सकयल आयली.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं पावणो खानावळीच्या दारांत उबो रावून मॅनेजराकडे गजाली करतालो. इतल्यांत थंय एक सोरो भरिल्ली गाडी येवन थांबली. ते गाडये बराबर एक सुणो आयिल्लो. पावण्याक पळोवन ताका कितें दिसलें जाण कोण, ताणें ताचेर एकदम उडी घेतली. मॅनेजरान पट्ट्याक धरून ताका फांटी ओडलो आनी पावण्याक वाटायलो.

“हो सुणो केन्नाच कोणाचे वाटेक वचना. तुमच्यांत ताका कितें वेगळेंपण दिसलें कळना.” अशें मॅनेजरान पावण्याकडे पळोवन म्हळें.

तसो तो तोंड धुंवडावन नाकतिकन माळयेर गेलो.

थोड्या वेळान मॅनेजर पावण्याची खबर घेवपाक माळयेर गेलो. तो कुडींत पांय दवरतालो इतल्यांत वाऱ्यावयल्यान एक भूत आयलें आनी ताच्या हडड्यार बसलें. अचकीत वगिल्ले ते मुठीन तो सपको दाराभायर शेवटलो. मागीर आनी तो कुडींत वचपाचे भानगडींत पडलोना. रातीचें जेवण घेवन सकाळचीच वाडटली कुडींत गेली. त्या वेळार पावण्यान दोळ्यांक काळें वकल लावंक नाशिल्ल्यान तिका ताचो चंग सारको पळोवंक मेळ्ळो. ताचे दोळे बोटभर भितर आशिल्ले. त्या दोळ्यांकडे पळोवन ती भिली आनी भूत..भूत अशो किळाच्यो मारीत सकयल धांवली.

पावण्याक कसली तरी पिडा जाल्ली आनी ताच्या सगळ्या आंगांक धवे-काळे दाग पडिल्ले. तो कोण आनी खंयसून आयला हें कोणाकूच खबर नाशिल्लें. पूण तो येतकच गांवांत हाचे पयलीं केन्नाच घडूंक नाशिल्ल्यो अशो गजाली घडटाल्यो.

थंयच्या एका पाद्रीच्या घरांत मध्यानरातीं एक व्हड आवाज जालो म्हणून लोक धांवले. दिवो पेटोवन पळेत जाल्यार भितर कोणूच नाशिल्लो. फकत एक अर्दकुटी जळिल्ली मेणवात, थंयच्या मेजार आशिल्ली. अजापाची गजाल म्हळ्यार घराचीं दारां आनी जनेलां धापिल्लीं आसतनाय मेणवातीच्या उजवाडांत चोरान पाद्रीलीं पोवनां चोरिल्लीं.

एकदां पावण्याक मेळूंक गेल्लेकडेन मॅनेजराक तागेले कुडींत कितल्योश्योच लुगटाच्यो तिस्त्यो दिसल्यो. पावणो मात खंयच दिसलोना. ताका ताणें भायर वतनाय पळोवंक नाशिल्लो. "खंय गेला काय हो?" अशें मनांत म्हणत तो सकयल आयलो. इतल्यांन खानावळीचें फुडलें दार उगडलें आनी धांपलें. पूण कोणूच भायर गेलोना वा भितर

आयलोना. हें पळोवन तो सामको भिलो आनी थोड्या वेळान पावणो माळयेची सोपणां देवूंक लागलो तसो ताचो आवरोच उडलो.

“वदळ तूं माळयेर नाशिल्लो. जाल्यार तूं वयरसून कसो आयलो? केन्ना गेलो तूं वयर?” अशें ताणें पावण्यांक विचाल्लें. पूण पावण्यान कांयच जाप केलीना. तो फकत हांसलो आनी भायर गेलो.

तो खानावळींत रावूंक आयल्यार जायते दीस जाल्ले. पूण ताणें कुडींचें भाडें वा जेवणाचे पयशे एकदांय दिवंक नाशिल्ले. मॅनेजरान जेन्ना ताका पयशांविशीं विचाल्लें आनी हाचेफुडें पयशे दिल्यारूच तुका जेवण दितलों अशें सांगलें तेन्ना पावण्यान ताचेकडे झगडें केलें आनी तो ताका मारूंक आयलो.

पावण्याची मस्ती पळोवन मॅनेजरान पोलिस थाण्यार ताची कागाळ केली. पोलिस लोकांक घेवन जेन्ना ताका धरपाक गेले तेन्ना ताच्या आंगार एक बुरखो आशिल्लो. लोकांनी ताचेर उडी घाली तशी थंय बरीच लटाफट जाली आनी त्या लटाफटींत लोकांच्या हातांत ताच्या आंगावयलो बुरखो आयलो. तो मात खंयतरी नाच्च जालो. तो खंय गेलो हें कोणाकूच कळ्ळेंना.

पावणो कूड सोडून गेल्लो पूण तागेलें बॅग मात कुडींतूच आशिल्लें. तातूंत तागेली एक दीसपट्टीय आशिल्ली. गांवांतले दोग तरनाटे ती वाचूंक बशिल्ले. इतल्यांत मार्वेल नांवाच्या एका मनशाक घेवन पावणो थंय आयलो आनी त्या तरनाट्यांक बडोवंक लागलो. तो अदृश्य आशिल्ल्यान आपणाक कोण मारता हें तांकां कळ्ळेंच ना. भूत....भूत..... शी बोबाट मारीत ते थंयसून धांवले. मागीर पावण्यान आपलें बॅग मार्वेलाच्या माथ्यार दिवन भायर व्हेलें.

मार्वेल हो एक सामको सादो मनीस आशिल्लो. पावण्यान अदृश्य रूपान ताका खूप भेशटायल्लो. म्हणून तो तोंड धापून तागेलीं सगळीं



कामां करतालो. एक दीस पावण्यान ताका हिमपाभायर करुन करूंक लायिल्ल्यान तो सामको बेजारलो आनी थंय लागींच आशिल्ल्या 'जॉली क्रिकेटर्स' नांवाच्या क्लबांत वचून थंयच्या लोकांक ताणें आपल्या फाटल्यान एक अदृश्य मनीस लागला म्हणपाचें सांगलें. लोकूय त्या अदृश्य मनशाच्याच मागार आशिल्ल्यान ताणीं मार्वेलाक एका कुडींत घालो आनी अदृश्य मनशाची वाट पळेत ते भायर बसले.

थोड्या वेळान पावणो अदृश्य जावन आयलो आनी मार्वेलाक कुडींतल्यान भायर ओडूंक लागलो. मार्वेल हुयेल्यो मारूंक लागलो तशे लोक पावण्याक धरूंक धांवले. पूण ताणें तांकां चकयले आनी तो पळून गेलो. ताच्या पावलांच्या आवाजाचे दिकेन पोलिसान फार पेटयले पूण ताचें मडें कांय थंय पडलेंना.

तेच राती बारडोल गांवांतले डॉ. कॅम्प आपली कोंसुलतोर धापून जेन्ना घराकडे आयले, तेन्ना घराचे व्हारांदीचेर तांकां रगताचे थेंबे पडिल्ले दिसले. ते पळोवन ताका अजाप जालें. ते तशेच कुडींत गेले. जाल्यार

तांच्या हातरूणांचेरूय रगताचे थेंबे पडिल्ले. हें रगत हांगां खंयसून आयलें अशे येवजणेंत ते पडिल्ले आसतनाच ताच्या मुखारूच एक आंगशाची तिस्ती कित्याचेतरी भोंवतणी गुठलावतना ताका दिसली. ती भूतबादा पळोवन ते सामके भिले आनी भायर वचूंक लागले. इतल्यांत "भियेंव नाका दोतोर कॅम्प! हांव तो तुजो इश्ट ग्रिफीन!" अशीं उतरां ताच्या कानार पडलीं आनी उतरांच्या फाटोफाट इतलो वेळ अदृश्य आशिल्लो मनीस आपल्या खऱ्या रूपांत ताच्या फुड्यांत उबो रावलो.

आपल्या एकावेळावयल्या कॉलेजांतल्या इश्टान केल्लो तो अद्भूत चमत्कार पळोवन डॉ. कॅम्प अजापांत पडले. कांय वर्सां पयलीं ग्रिफीन कॉलेज सोडून गेल्लो इतलेंच ताका खबर आशिल्लें. पूण फुडें तो खंय गेलो आनी ताचें कितें जालें हे ताका कळूंक नाशिल्लें.

ग्रिफीन हो एक गूंड जातीचो तरनाटो आशिल्लो. कॉलेजांत आसतनाच तो खूप गुंडगिरी करतालो आनी बाकीच्या भुरग्यांक सतायतालो. एक वर्स तो कॅम्पाबराबर तागेल्या क्लासांत आशिल्ल्यान ताका वळखतालो. एक दीस ताणें कॉलेज सोडलें आनी दुसऱ्या गांवांत वचून ताणें एक प्रयोगशाळा उगडली. ते खातीर ताणें बापायल्या पेटलांतली लोकांनी घाणांक दवरलेली भांगराची पोटली चोरली. बापूय बाबडो आपूण लोकांच्या रिणांत पडलो म्हणून हाय खावन रोकडोच सोंपलो.

ग्रिफीन गूंड आसलो जाल्यारूय तकलेन खूप हुशार आशिल्लो. कांय वर्सां ताणें दीस रात प्रयोग करून मनीस अदृश्य जावपाचें एक वखद सोदून काडलें. प्रयोग सादलो तशी ताणें ती प्रयोगशाळा मोडून उडयली आनी अदृश्य रूपान तो चोरयो करूंक लागलो. 'कॉच अँड हॉर्सेस' खानावळींत वतना दोळ्यांक लायिल्लें काळें वक्ल आनी ओंठावयल्यो व्हडल्यो मिशो, ह्यो दोनूय वस्तू लेगीत ताणें एके नाटक

कंपनींतल्यान चोरिल्ल्यो.

'जॉली क्रिकेटर्स' क्लबांत जाल्ल्या फारफेटांत ताच्या हाताक पोलिसाल्या पिस्तुलांतली गुळी लागिल्ली आनी ताचेर वखदपाणी करपाखातीर तो आपल्या पोन्न्या इश्टाक सोदूंक आयिल्लो. गुळी लागिल्ल्या हातांतसून जें रगत गळटालें तेंच डॉ. केम्पाल्या दरभर जाल्लें.

"म्हज्या हाताक वखद लाय!" अशें ताणें धपकावन म्हळें तशें डॉक्टरान ताच्या हाताची आंगशाची तिम्नी मोडून उडयली आनी वखद लावन बरें बँन्डेज बांदलें.

"तुज्या हाताक कितें जालें?" डॉ. कॅम्पान ताका विचाल्लें. पूण ग्रिफीनान ताका खरी गजाल सांगलीना. डॉक्टराक मात ताचो सभाव खबर आशिल्ल्यान ताणें खंयतरी गुंडगिरी केल्या आनी थंय जाल्ल्या फारफेटांत ताच्या हाताक गुळी लागल्या हें समजुपाक वेळ लागलोना.

"हांव हाचेफुडें तुमगेरूच रावतलों आनी हांगासून म्हगेलें वेव्हार करतलों". ग्रिफीनान डॉक्टराक म्हळें, तसो ताणीं ताका आपणागेर दवरपाक न्हयकार दिलो. ग्रिफीनान जेन्ना हट्टूच धल्लो आनी तो चड्डूच दादागिरी करूंक लागलो तेन्ना ताका धरून पोलिसां सुवादीन करचो अशें येवजून डॉक्टर ताका धरपाक गेलो पूण तो एकाएक अदृश्य जालो आनी थंयसून पळून गेलो.

दोन दिसांनी ताणें डॉक्टराक एक चीट बरयली आनी आपूण तुका जितो मारतलों म्हणपाचें कळयलें. आपूण खंयच्या टायमाक मारतलों तेंवूय ताणें चिटींत बरयल्लें.

चीट वाचून डॉ. कॅम्प सामके भियेले आनी ताणीं ती चीट बेगोबेग पोलिसां सुवादीन केली. पोलिसांनी तांकां धीर दिलो आनी तांचे राखणेची व्यवस्था केली.

ग्रिफीन येवपाच्या टायमाक ताणीं तांकां एके बंद कुडींत बसयले

आनी दाराभायर ते ग्रिफीनाची वाट पळेत बसले. चिर्टीत बरयल्लें तेच टायमाक ग्रिफीन अदृश्य रूपान आयलो आनी डॉक्टर बशिल्ले ते कुडीचें दार बडोवंक लागलो.

पोलिसांनी विस्वास दिलो पूण तांचेर पातयेवपाचो डॉ. कॅम्पाक धीर जालोना. ग्रिफीन दाराचेर मोठ्यामोठ्यान धपके घालूंक लागलो तशे ते कुर्डाच्या फाटल्या दारान भायर सल्ले आनी शेजाऱ्याल्या घराकडे वचून आपणाक भितर घेवपाक ताणीं तांकां काकुळटेन सांगलें. पूण ही आनी नसती कटकट नाका असो विचार करून शेजाऱ्यान तांकां भितर घेतलोना. तशे ते आपशींच ग्रिफीनच्या कचाट्यांत सांपडले.

ग्रिफीन तांकां मारूंक लागलो तशी ताणीं जिवाच्या आकांतान बोवाट माल्ली. तागेली बोबाट आयकून लोकांनी अदमासानूच ग्रिफीनाचेर हल्लो केलो. दोगांजणांच्या हातांक ताचे पांय लागले. तशें तांणी ते घट्ट धल्ले आनी एकट्यान अदमासान ताचे तकलेर दांडो घालो. तो धपको ज्युस्त वर्मार बसलो आनी एक व्हड किंळाच मारून ताचें नागडें मडें थंयचे जमनीर पडलें.

लोकांक पिडापीड करपी एक अदृश्य मनीस अशेतरेन एकदाचो सासणाचो सोंपलो.

***

इत्से सारकें फळ
(व्हडल्यो अपेक्षा)

चार्लस डिकन्स हांची 'ग्रेट एक्सपेक्टेशन्स' ही नवलिका भुरग्यांक चड आवडपासारकी आसा. ते नवलिकेचो संवसारांतल्या चडशा भासांनी अणकार जाल्लो आसा.

संवसारभर गाजिल्ले हे नवलिकेंत बरोवप्यान बरें कितें आनी वायट कितें हाचो विचार चड बारीकसाणेन मांडला. त्या खातीर ताणें तरेतरेच्या सभावाचीं मनशां पितारल्यांत. एका दादल्यान आपणाक फटयलो म्हणून सगळ्याच दादल्यांचो दुस्वास करपी हे विशींय जशें हे नवलिकेंत आसा तसोच आपणाचेर उपकार करतल्याची घट्ट याद धरून ताचें बरें जावंचें हे खातीर वावुरपी आबेल नांवाचो चोरूय आसा. दुसऱ्याचे सांगणेन आपल्याच पांयार फातोर मारून घेवपी इस्टेला नांवाचें चली आसा तसोच दुसऱ्यान आपलें वायट केलें जाल्यारूय ताचें भलें चिंतपी 'पीप' नांवाचो भुरगोय आसा.

पळेतल्याची नदर पावचिना येद्या व्हडल्या त्या घराचीं चडशीं जनेलां धापिल्लींच आशिल्लीं आनी वण्टीवयलीं घडयाळां चावी दिवंक नाशिल्ल्यान बंद पडिल्लीं. सालांतल्या एका मेजार लग्नादिसा मांडून दवरलेलो फराळ अस्ताव्यस्त पडिल्लो, आनी तो कुशिल्ल्यान घाण



सुटिल्ली.

घराची मालकीण हेबिशेम आनी तिणें पोशिल्लें इस्टेल नांवाचें एक सान चली अशीं दोगांच जाणां येद्र्या व्हडल्या घरांत रावतालीं. हेबिशेम लग्नाखातीर शिविल्लो विस्तीद घालून केन्ना केन्नाय मिरयताली आनी मागीर ताची बरी घडी करून आलमारींत दवरताली. कांय दिसां आदीं तिगेलो घोव लग्नाचे रातीच तिका फटोवन पळून गेल्लो आनी ती आपल्या नशिबांत आयिल्ली एकसुरपणाची जीण इस्टेलाच्या आदारन जियेताली.

ती वयल्यान शांत दिसताली, पूण तिच्या अंतस्करणाभितर दादल्या विशींचो दुस्वास खदखदतालो.

इस्टेला ल्हान आशिल्ल्यान ताचे बराबर खेळपाक तिका एक सान चलो जाय आशिल्लो. तिणें रोकडोच पीपच्या भावोजीक आपोवन व्हेलो आनी पीपाक आपणागेर कामाक धाडपाक सांगलें.

पीपाचो भावोजी सदांच दुयेंस आशिल्लो. कश्टकाम करून जोडिल्ल्या पयशांनी तो आपलो संवसार चलयतालो. आवयबापूय मरतकच सान पीपाक भयणीन आपलें सगीं केल्लो.

पीपाक शिकपाची आवड आशिल्ली. तागेल्या भावोजीकूय ताका शिकयनशें दिसतालें. पूण हातांत पयशे नाशिल्ल्यान तो ताका शिकोवंक शकनाशिल्लो. ताची पीपाचेर खूब माया आशिल्ली. पोटाक वेळार अन्न मेळटलें आनी खर्चूक दोन पयशेय मेळटले हें येवजून तागें पीपाक हेबिशेम बायगेर धाडलो.

हेबिशेमालें व्हडलें घर पळोवन पीप पयलीं मातसो कांचवल्लो. पूण थोडे दीस वतकच ताची भीड चेपली आनी तो त्या घरांत सदळसाणीन वावरूंक लागलो. तो दिसाचो थंय वतालो आनी रातचो न्हिदूंक भावोजील्या खोपटांत येतालो. त्या खोपटांतूच तो खुशें मुखार भोगतालो.

हेबिशेमबायल्या घराकडे वचपाचे वाटेर एक ससंड आशिल्ली. पयलीं पयलीं थंयच्यान वतना तो भितालो. पूण थोड्याच दिसांनी ताचें भंय उणें जालें आनी निशांत मनान तो ते वाटेन वचूंक लागलो. एक दीस हेबिशेमबायगेरसून घरा येतना ससंडीकडे पावतकच एका खाडमिशांच्या मनशान ताका हडकिलो. पिंजक्या कपड्यांतल्या त्या मनशाच्या पांयांत बेडयो आशिल्ल्यो. ताका पळेनाफुडें पीपाक थरथरो भल्लो. तो पळून वतलो, इतल्यांत त्या मनशान ताका उलो मारून म्हळें, "म्हाका खूप भूक लागल्या. म्हजे खातीर कितेंय खावंक हाड. आनी येतना बरोबर एक कानस हाडूंक विसरूं नाका."

पीप सामको भिल्लो. पूण तो भुकेल्लो आसा हें पळोवन ताका काकुळट आयली. तो धांवत हेबिशेमबायगेर गेलो आनी आवाज करिनासतना रांदचेकुडींतलें इल्लेंशें धुकराचें मटण, आनी मेजाखणांतली एक कानस घेवन त्या मनशा म्हऱ्यांत आयलो. तो थंय पावलो तेन्ना त्या

खाडामिशांच्या मनशावांगडा आनीक एक मनीस मोठ्यामोठ्यांनी उलयतालो. थोडच्या वेळान त्या दोगांचेंय झगडें जालें आनी खाडमिशेकारान त्या दुसऱ्या मनशाक धांवडावन घालो.

पीपान हाडिल्लें मटण खावन ताणें धेंकर दिलो आनी कानशीन पांयांतल्यो बेडयो कापल्यो.

"तुवें म्हजेर केल्ले उपकार हांव केन्नाच विसरचोना. आनी ते कशेयतरेन पावयल्या बगर रावचोना." ताणें पीपाक म्हळें. तो थंयसून वचचे पयलींच दोग पुलीस आयले आनी ताका घेवन गेले. बंदखणींतल्यान पळून आयिल्लो तो एक चोर आशिल्लो. ताका पुलीसांनी धरून व्हेलो म्हणून पीपाक खूप वायट दिसलें.

तो हेबिशेमबायगेर वतालो पूण थंय तो खोशी मात नाशिल्लो. इस्टेला ताचेकडे बरें वर्तन करिनाशिल्लें आनी हेबिशेम आपणाक एका दादल्यान फटयली हाचो राग ताचेर काडटाली. ती ताका सामको हिडीसफिडीस करताली. वेळार जेवण मेळटालें आनी थंय मेळिल्ल्या पयशांचो भावोजील्या संवसाराक आदार जातालो इतलेच खातीर तो थंय कश्ट उसपितालो.

अशेभशेन कांय वर्सां गेलीं आनी एक दीस जॉगर्स नांवाचो एक अनवळखी मनीस ताका सोदीत तागेल्या भावोजीगेर आयलो. जॉगर्सान भावोजीक म्हळें, "म्हाका एका गिरेस्त मनशान तुमचे सरीं धाडला. ताच्या मनांत तुमच्या पीपाक शिकोवन व्हड मनीस करपाचें आसा. तुमी मान्यताय दिशात जाल्यार हांव ताका लंडनाक व्हरूंक सोदतां."

पीपालें शिकपाचें सपन पुराय जावपाच्या आड आपणें येवंचें न्हय अशें येवजून भावोजी ताका लंडनाक धाडपाक तयार जालो. आपल्या भावाक पयस धाडटना ताचे भयणीकूय दूख जालें पूण तो शिकून व्हड मनीस जावंचो हेखातीर तिणें मन घट्ट केलें आनी ताका आयिल्ल्या

मनशाबराबर धाडलो.

जॉगर्स पीपाक घेवन लंडनाक गेलो आनी ताचें नांव तागें एक नावाजतें शाळेंत घालें. शाळेच्च्या हॉस्टेलांत ताची रावपाची व्यवस्था केली आनी तुका कसलीय गरज लागली जाल्यार म्हाका सांग. ज्या गिरेस्त मनशान तुका हांगा हाडूंक लायला तो तुगेल्यो सगळ्यो गरजो भागयतलो अशें सांगून तो थंयसून गेलो.

पीपालें शिक्षण सुरू जालें. तकलेन हुशार आशिल्ल्यान तो एक एक परिक्षा पास जायत गेलो. ताका कितें जाय तें तो जॉगर्साक सांगतालो आनी तागेलो उपकारकर्तो तें ताका रोखडेंच पावयतालो. आतां तो पयलींचो दळदिरो पीप उरूंक नाशिल्लो. ताच्या आंगावयले कपडेय नवे फॅशनीचे आसताले आनी खेडवळ मनशांकडें उलयतना ताका आतां लज दिसताली.

आपणाचेर येदो व्हड उपकार करपी गिरेस्त कोण हें मात पीपाक अजून खबर नाशिल्लें. कांय वेळा ताका हेविशेमबायनूच आपणांचेर हो उपकार केला जातलो असो दुबाव येतालो आनी मनांतल्यान तो तिजे उपकार आठयतालो.

एक दीस हेविशेमबायन चीट बरोवन ताका आपणागेर आपोवन व्हेलो आनी शिकून सवरून तो वयल्या पांवड्यावेलो नागरीक जालो म्हणून खोशी परगटायली. आपल्या मनांतल्यान इस्टेलाकूय शिक्षणाखातीर लंडनाक धाडपाचें आसा. थंय ताका तूं आदार कर अशेंय तिणें ताका सांगलें.

इस्टेलाची आनी आपली इश्टागत जावंची हेखातीर तिची ही येवजण आसतली अशें पीपाक दिसलें आनी तो खोशी जालो. पूण इस्टेला कॉलेजांत वचूंक लागतकच ताचो सांगात सोडून जेन्ना हेर तरनाट्यां फाटल्यान भोंवूंक लागलें तेन्ना तो मनांतल्यान खंती जालो. आनी फुडें

जेन्ना ताणें बँटले नांवाच्या एका फाफरांव तरनाट्याकडें लग्न केलें तेन्ना ताचें काळीज हुंदक्यांनी रडलें. पूण तेंय दूख ताणें भितल्ले भितर गिळ्ळें आनी तोंडार हांशें केळयलें.

आपली शिकपाची भूक ज्या गिरेस्त मनशान भागयली ताका पळोवपाची ताची इच्छा एक दीस अचकीत सफळ जाली. तागेल्या एकविसाव्या जल्मदिसा तो गिरेस्त ताका मेळूंक आयलो.

तो दुसरो तिसरो कोण न्हय जाल्यार कांय वर्सांफाटीं जाका ताणें खावपाक मैटण आनी बेडयो कापपाक कानस दिल्ली तोच तो मनीस आशिल्लो. बंदखणींतल्यान सुट्टकच ताणें व्हड धंदो करून पयसो जोडिल्लो. पीपान आपणाचेर केल्ल्या उपकाराचो ताका केन्नाच विसर पडूंक नाशिल्लो. ताका बरें शिक्षण दिवन ताणें त्या उपकाराची परत फेड केल्ली.

उलयतां उलयतां त्या गिरेस्तान ताका आपली सगळी गजाल सांगली:

ताचें खरें नांव आवेल आशिल्लें. पूण दुस्मानाक फटवपाखातीर ताणें भेस बदलल्लेलो आनी प्रोवीस अशा फटीच्या नांवान तो वावुरतालो. कांय वर्सां फाटीं मसंडींत ताचें ज्याचेकडें झगडें जाल्लें ताचें नांव कॅम्पिसन आशिल्लें. कॅम्पिसन फटींग मनीस आशिल्लो. एकावेळावयलो ताचो तो धंद्यातलो भाग आशिल्लो. ताणें फसयल्यानूच आवेलाक बंदखणींत वचचें पडिल्लें. अजूनय तो ताची फाट सोडपाक तयार नाशिल्लो. हेबिशेमबायकूय लग्नाचें उतर दिवन लग्नादिसा तिका नाडून पळून गेल्लो तरनाटोय कॅम्पिसनूच आशिल्लो.

आवेलाचे जिणेची ती काणी आयकून पीपाक वायट दिसलें. जायत ते भशेन आपल्या उपकारकर्त्याक कॅम्पिसनाचे भकींतल्यान वाटोवंचो अशें येवजून ताणें ताका होडयेंतल्यान दुसरे देसांत व्हरपाचें थारायलें.



पूण आवेलाच्या वायट नशिबान तो होडयेंत बसलेल्या ज्युम्न वेळार कॅम्पिसन थंय आयलो आनी ताचेकडे ताणें झगडें केलें. व्हड लटाफट जाली आनी ते लटाफटींत आवेलाच्या हातान कॅम्पिसनाक मरण आयलें. रोकडेच पुलीस आयले आनी आवेलाक घेवन गेले. फुडें बंदखणींतूच तो मेलो. तो मेल्ल्याची खबर कळ्ळी तेन्ना पीपाचे दोळे दुखान कितल्लेंशेच दीस व्हांवताले. काळें रिबीन लावन ताणें ताचें सुतक पाळ्ळें.

हेबिशेम आपलो दुस्वास करता आनी तिचेच सांगणेन ड्रम्टेलान बँटलेकडे लग्न केलां म्हणपाचें पीपाक हळू हळू कळ्ळें. तुवें म्हजेकडें असो दुश्टावो कित्याक केलो? अशें विचारपाखातीर तो एकदां तिगेल्या घराकडे गेलो. थंय तिगेलें घर उज्याचे भकीक पडिल्लें पळोवन ताका अजाप जालें. ताणें लोकांकडे वासपूस केली तेन्ना एके रातीकडे अचकीत तिगेल्या घराक उजो लागलो आनी त्या उज्यांत तीवूय हुलपून मेली म्हणपाचें ताका कळ्ळें. तें आयकून ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हावूंक

लागलीं. कितलीय दुश्ट आसली जाल्यारूय एका वेळार तो तिच्या आलाशिऱ्याक राविल्लो आनी तिगेलें अन्न ताच्या पोटांत गेल्लें.

भावोजील्याच गांवच्या पोकेट नांवाच्या एका गिरेस्ताचे भागींत ताणें लंडनाक एक धंदो उबो केलो. एक दीस तो पोकेटाक मेळूंक गांवांत गेल्लेकडेन हेबिशेमबायल्या अर्दकुट्या जळिल्ल्या घरांत ताका इस्टेला दिसलें. ताच्या आंगार पिंजके कपडे आशिल्ले. आपले एका वेळावयले ते इश्टीणीक तसले अवतीकायेंत पळोवन तो खूप कश्टी जालो. तो तिचे म्हऱ्यांत गेलो आनी तिची मायेन वासपूस केली. तेन्ना इस्टेलान आपले जिणेची दुखेस्त काणी ताका सांगली.

आवय बापूय नाशिल्ल्या सान इस्टेलाक हेबिशेमबायन आलाशिरो दिवन मायेन वाडयल्लें. हेबिशेमबायक एका दादल्यान फटयली तेन्नाच्यान ती सगळ्या दादल्यांचो दुस्वास करूंक लागली आनी इस्टेलाकूय तिणें तशेंच करपाक शिकयलें. हेबिशेमचे सांगणेनूच तें पीपाकडे बरो वर्ताव करिनाशिल्लें. पीप ताका आवडटालो आनी ताचेकडे लग्न करपाची ताका इत्सा आशिल्ली. पूण ताचो दुस्वास करपी हेबिशेमबायन मुद्दामूच ताका बँटलेकडे लग्न जावंक लायिल्लें.

लग्न जातकच थोड्याच तेंपान बँटले एका आक्सीदेंतांत सोंपलो आनी तें उबंत पडलें. ताचेकडे भोव पयशे आशिल्ले ताचेर तें आपले जिणेतले दीस धुकळटालें.

आपली काणीं सांगतनां ताच्या दोळ्यांक दुखांच्यो धारो लागिल्ल्यो. पीपान ताचीं दुखां पुसलीं आनी ताचे हात मायेन हातांत घेतले. "म्हजी तुजेकडेन लग्न जावपाची इत्सा आशिल्ली" ह्या इस्टेलाच्या उतरांनी ताचे चड तेपाचे इत्सेक पालव फुटलो. ताणें ताच्या केंसांवयल्यान मोगान हात भोंवडायलो, तेन्ना तें ताच्या खांदार मान दवरून हुंदक्यांनी रडूंक लागलें.

पीपान मायेच्या उतरांनी ताका समजायलें आनी तांचेमयतन तो लंडनाक गेलो. इस्टेल्लाकडें लग्न जावपाची ताची चड तेपाची इत्सा एक दीस सफळ जाली आनी एकामेकाच्या सांगातान तीं दोगांय खूब वर्सां मेरेन सुखी जीण जियेलीं.

***

मॉंट क्रिश्टोचो जागीरदार

अॅलेक्झांडर ड्युमा हे एक नामनेचे फ्रेंच नवलिकाकार जावन गेले. 'काऊंट ऑफ मॉंट क्रिश्टो' ही तागेली चड गाजिल्ली नवलिका. ती एक साहसकथाय म्हळ्यार जाता. आंगार काटो फुलोवपी कांय प्रसंग ड्युमांनी हे नवलिकेंत चितारल्यात. दुस्मानांच्या भकीक पडिल्ल्या मनशांची काळीं कर्तुबां रंगयतना आनी आकांत आनी करूण रसांची आळवणी करतनां तांगेले लिखणेन राग, लोभ, मद, मत्सर हांचो वापर करून उंचेल्या पांवड्यावयलें कसब परगटायलां.

एका व्हडल्या काळ्या कुळकुळीत तळपाचेर बांदिल्ल्या त्या उंच दुर्गाचें नांव आशिल्ले 'शातोर्दीफ'. थंयची बंदखण ही खासा जल्मठेपीच्याच बंद्यांखातीर बांदिल्ली. दान्ते नांवांचो एक तरनाटो बंदी थंय जल्मठेप भोगतालो. चौदा वर्सां तो थंय आशिल्लो. पूण बंदखणींत पडपासारको कसलो गुन्यांव आपल्या हातान घडला हें मात ताका खबर नाशिल्लें. न्हय, ताका तें कोणेच सांगूंक नाशिल्लें.

चौदा वर्सां पयलीं लग्नाच्या भरिल्ल्या माटवांतसून एका सरकारी शिपायान ताका मामलतदार व्हियेफोरा म्हऱ्यांत व्हेलो. थंय वतना तो एके कुशीक उबो आशिल्ल्या तागेल्या मोगाच्या मेर्सेदिसा म्हऱ्यांत उबो राविल्लो, आनी ताणें म्हणिल्लें :



"मेर्सेदिस, तूं भियोंव नाका! हांव गेकडोच येतां. हांवें कसलोच गुन्यांव करूंक ना."

मेर्सेदिसानूय दोळ्यांतल्यान दुकां गळयत ताका म्हणिल्लें, "गेकडोच यो! हांव तुजी वाट पळयतां!"

ते गजालीवयल्यान चौदा वर्सां उलगलीं पूण तो 'गेकडोच' मात केन्नाच उदेलो ना.

चौदा वर्सां पयलीं, म्हाल भरिल्लें एक तारूं मार्सेल्स बंदराची वाट चलतालें. तें अर्दे वाटेर आसतनाच तारवाचो तांडेल 'लेक्लार्क' वायट जावन मेल्लो. मरचे पयलीं ताणें दान्तेक आपल्यासरीं आपोवन व्हेल्लो आनी तारूं मार्सेल्स बंदराक व्यवस्तीत लावपाची जबाबदारी ताचेर सोंपयल्ली. तशेंच वाटेंत एल्बा बेटांचेर देवून थंयच्या एका मनशाक चीट पावोवपाचें काम ताणें ताका सांगिल्लें.

लेक्लार्कान मरच्यापयलीं सांगिल्ले प्रमाण एल्बा बेटाचेर वचून थंयच्या मनशाक ताणें चीट दिल्ली आनी पॅरिसांतल्या एका मनशाखातीर

ताचेकडल्यान चीट हाडिल्ली. मागीर ताणें तारूं व्यवर्स्तीत बंदराक लायिल्लें.

त्यो गजाली ताणें आपल्या मेल्ल्या तांडेलांचे सांगणेन केल्ल्यो. ताचो सोताचो तातूंत इल्लोय सुवार्थ नाशिल्लो.

दान्तेन त्यो गजाली जरी सुवार्थाविरयत केल्ल्यो तरी त्या गजालींक लागून जांच्या सुवार्थाक बादा आयिल्ली ताणीं कपट करून ताका राष्ट्रद्रोही थारायलो आनी बंदखणींत उडयल्लो.

फेर्नाच्या मत्तान जाल्यार तो मेर्सेदिसाकडे लग्न जातालो, होच ताचो सगळ्यांत व्हड गुन्यांव आशिल्लो.

फेर्ना हो मेर्सेदिसाचो मावशेभाव. तो तिजेर मोग करतालो, आनी तिचेकडे लग्न जावपाची ताका इत्सा आशिल्ली. मेर्सेदिसान मात ताचेकडेन लग्न जावपाक न्हयकार दिल्लो. ताणें आपलो मोगाचोच भाव म्हणूनूच रावचें अशें तिका दिसतालें. पूण फेर्ना सामको मूर्ख आशिल्लो. तिका समजून घेवपाची ताच्यात अक्कल नाशिल्ली. दान्तेवयल्या मोगाक लागून ती आपणाक न्हयकार दिता अशें समजून तो तिजो दुस्वास करतालो.

मेर्सेदिसाकडे थारिल्लें दान्तेचें लग्न कशेयतरेन मोडचें आनी ताका जल्माची बुद्द शिकोवंची ह्या विचारांत तो दीस रात तळमळटालो.

तो असो तळमळ्यांत पडिल्लो आसतनाच एक दीस ताका दान्तेचो आनीक एक दुस्मान दँग्लर मेळ्ळो. दोग विखाळे सोरोप एकठांय जाले आनी ताणीं दान्तेचो कांटो काडपाचो कट रचलो.

दान्ते ज्या तारवार तांडेलाच्या हातासकयल काम करतालो त्याच तारवार दँग्लर दलाल आशिल्लो. लेक्लार्कच्या मरणां उपरांत तांडेलपण आपणाक मेळचें अशें ताका दिसतालें. पूण तारवाचो धनी मोराल हो दान्तेचेर खोशी आशिल्ल्यान ताणें तांडेलपण दान्तेसुवादीन करपाचें

थारायल्लें.

दान्ते आमा तांमेंग आपणाक तांडेलपण मेळचेंना हें जाणां आशिल्ल्यान ताका तगमांत उडोवन तांडेलपण हातामधलें डँग्लान थारायल्लें. तो मंदीची वाट पळेतालो. इतल्यांत ताच्या लग्नांत ताका जाय तसोच सांगाती मेळ्ळो.

फेर्नाक उलयत उलयत ताणें एका बारांत व्हेलो आनी येतारत सांगं पियेवलो. ताचेभितर आशिल्ल्या दान्तेच्या दुस्वासाच्या उज्याक विखाळ्या उतरांनी फूंक घाल्ली आनी उज्यान पेट घेतलो तशी ताचेकडल्यान दाव्या हातान एक चीट बरोवन घेतल्ली.

मामलतदाराच्या नांवान बरयल्ले तें चिटींत ताणें दान्तेचेर राष्ट्रद्रोहाचो आरोप केल्लो आनी आरोपाक पुश्टी दिवपाखातीर नेपोलियन बंदीत आशिल्ल्या एल्बा बेटाचेर तो गेल्लो आनी थंयसून ताणें एक चीट हाडल्या म्हणपाची खबर बरयल्ली.

नेपोलियन बोनापार्ट तेन्ना एल्बा बेटाचेर राजबंदी म्हणून आशिल्लो आनी आठवो लुई फ्रान्साचेर राज्य करतालो. राजनिश्ठेचें नाटक करपी फटींग लोकांनी तोपी फिरायल्ली आनी नेपोलियनाकडे आशिल्ली निश्ठा काडून घेवन, आठव्या लुईच्या पांयांचेर ओंपिल्ली. आपूण नेपोलियनाचे व्हडांत व्हड दुस्मान अशें दाखोवपांत तांची चढाओढ लागिल्ली. मामलतदार व्हियेफोर होवूय तांचे भितल्लो एक आशिल्लो.

फेर्नान बरयल्ली चीट हातांत पडनाफुडें ताणें रोखडेंच दान्तेच्या नांवाचें पकड वॉरंट काडलें आनी शिपायांक धाडून लग्नाच्या भग्लेल्या माटवांतल्यान ताका धरून व्हेलो.

आपणें कसलोच गुन्यांव करूंक ना, अशें दान्तेन व्हियेफोराक सांगलें. तागेल्या सांगपांतली कळकळ पळोवन तो खरेंच सांगता जातलो अशें व्हियेफोराक दिसलें आनी ताका सोडून दिवंचो अशें ताणें थारायलें.

इतल्यांत ताका, 'ताणें एल्बा बेटावयल्यान पॅरिसांतल्या एका मनशाखातीर चीट हाडल्या म्हणपाची' याद जाली.

ताणें चिटीविशीं विचाल्लें तेन्ना दान्तेन ती चीट ताचेकडेन दिली. ताणें ती उगडून वाचली, तशें ताचें तोंड सामकें काळेविज्र जालें. ताणें दान्तेक सोडून दिवपाचो विचार घुंवडायलो आनी ताका बंदखणींत दवरपाचो हुकूम दिलो. ताचेच हुकमावयल्यान दान्ते शातोदीकाच्या बंदखणींत कुसतालो.

दान्तेन एल्बा बेटावयल्यान हाडिल्ली चीट नुआर्तिय नांवाच्या मनशाक आशिल्ली आनी नुआर्तियो दुसरो तिसरो कोण न्हय जाल्यार, व्हियेफोराचो बापूय आशिल्लो. ताची निष्ठा अजून नेपोलियनाकडे आशिल्ली.

आपल्या बापायच्या नांवान एल्बा बेटावयल्यान चीट आयल्या हें उक्तें जाल्लें जाल्यार, व्हियेफोर एका खिणांत आशिल्लो काय नाशिल्लो जातलो आशिल्लो. तशें जावंचें न्हय हे खातीर एकूच उपाय आशिल्लो आनी तो म्हळ्यार जाका ते चिटीविशीं खबर आशिल्लें त्या गवायदाराक ना करपाचो. तसो गवायदार एकूच आशिल्लो. दान्ते! म्हणूनूच ताणें ताका शातोदिकाचे बंदखणींत धाडिल्लो आनी तो खंय आसा हें कोणाकूच कळूंक दिवंक नाशिल्लें.

दान्ते सामको सादो तरनाटो आशिल्लो. आपलें काम बरें आनी आपूण बरो असो ताचो सभाव आशिल्लो. तागेलीं मायेचीं मनशां दोन. एक तागेलो जाण्टो बापूय आनी दुसरी मेर्सेदिस. ताका राजकारणांतले छक्केपंजे कांयच खबर नाशिल्ले. नुआर्तियो हो कोण मनीस हेंय ताका खबर नाशिल्ल्यान चीट वाचतकच व्हियेफोरान आपणाक सोडपा वाट्याचो बंदखणींत कित्याक घालो हें ताका कळ्ळेंना.

बंदखणींत धाडटना, व्हियेफोरान ताका ल्हवू आवाजांत म्हणिल्लें,

"तूं भियेंव नाका. हांव तुका रोकडोच मोडटलों. पूण तूं नुआर्तियो हें नांव मात तोंडांतल्यान केन्नाच काडूं नाका."

दान्तेन व्हियेफोराक दिल्लें उतर पाळ्ळें पूण व्हियेफोरान मात तें पाळ्ळेंना. वयल्यान, दान्ते सुटचो न्हय म्हणून सरकारी कागदपत्रांनी ताणें तो राष्ट्रद्रोही आसा म्हणपाचें बरोवन दवरलें.

आपल्या फुटक्या नशिबाक दोश दीत दान्ते बंदखणींतले दीस काडटालो. आपल्या फाटल्यान आपल्या जाण्ट्या बापायची आनी मोगाचे मेर्सेदिसाची कितें अवतीकाय जाल्या जातली हें येवजून तो कश्टी जातालो आनी ताच्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवूंक लागतालीं.

बंदखणींतल्यान आपली सोडणूक जालींना हें पळोवन व्हियेफोरान आपणाक फटयलो म्हणपाचें ताका कळ्ळें. ताणें आपणाक बंदखणींत खंयच्या गुन्यांवाखातीर घाला हें मात ताका केन्नाच कळ्ळेंना. बंदखणीच्या जेलराक आनी राखणदारांक तो परतून परतून तेंच विचारतालो. पूण तें जर तांकांच खबर नाशिल्लें जाल्यार ते ताका कशे सांगतले आशिल्ले?

एक दीस ताचेकडल्यान एक मोठोच अविचार घडलो. रागाच्या भरशी ताणें जेवण हाडटल्या शिपायाचेर कदेल उबारलें. शिपाय बोब मारीत गेलो. जेलरान ताका रोकडोच पिसो थारायलो आनी पिशांच्या कुडांत धाडलो.

तें पिशांचें कूड म्हळ्यार धर्तरेवयलो नरक आशिल्लें. थंयच्या दुर्गंधान थोड्या दिसांनी शाण्या मनशाक लेगीत पिशें लागल्यार अजाप नाशिल्लें. बाकीच्या बंद्यापासून तें कूड पयस आशिल्ल्यान ताका दीस दीस शिपाय सोडून दुसऱ्या मनशाचें दर्शन जायनाशिल्लें.

दान्तेन आपूण पिसो न्हय, रागाचे भरशी आपणाकडल्यान ती चूक घडली अशें जेलराक सांगलें. पूण ताणें तें आयकलेंना. बंद्यांक तरास दिवपांतूच जाका चड गोडी आशिल्ली तो ताचें थोडेंच आयकतलो आशिल्लो?

पिशांचे कुडींत दान्ते, न्हिदेविणें रातीच्यो राती जागून काडटालो. आनी ते जागेपणांत आपल्या म्हाताऱ्या बापायची आनी मेर्सेदिसाची याद काडून तळमळटालो.

असोच एके रातीकडे, तो हातरूणार पडिल्लो आसतना ताच्या कानार कसलो तरी आवाज पडलो. ताणें जेन्ना बारीकसाणीन आयकलें तेन्ना कोण तरी आपले कुडीर्ची, मुळच्यान जमीन खणटा हें ताचें मतींत आयलें. तो आवाज आयकून ताची थंयसून सुटपाची आस्त हयन्हयशी पालेली. ताणें जेवणाची कवचेची बशी जमनीर उडोवन फोडली आनी तिच्या एका व्हडल्याशा कुडक्यान जे वाटेन तो खणपाचो आवाज येतालो ते वाटेन जमीन पोखरपाक सुरवात केली. राखणदाराक ती गजाल कळची न्हय हे खातीर ताणें आपली खाट त्या बुराकावयर मांडली.

कितल्योश्योच राती तागेलें जमीन पोखरपाचें काम चालू आशिल्लें. आनी एके रातीकडे ताचे प्रयत्न सफळ जाले. तो पोखरतालो त्या जाग्यार

एक आरपार भुंयार तयार जालें. कांय वेळान त्या भुंयारांतल्यान एक म्हातारो बंदी तागेल्या कुडांत आयलो.

"आरे देवा! हांव सामको फटवल्लों. भुंयाराचें तोंड भायल्या रस्त्यार उगडटलें अशें हांव समजल्लों. म्हजे सगळे कश्ट फुकट गेले." त्या म्हाताऱ्यान भितर येतकच निराश जावन उद्‌गार काडले. पूण कांय वेळ वतकच ताणें दान्तेक म्हळें, "सोड! जालें तें जालें! आतां जाल्लें गजालीक उपाय ना. चड तेंपान तुजेसारको एक बंदी पळोवंक मेळ्ळो. हेंय थोडें न्हय!. कितलींशींच वर्सां म्हजो जीव दुसऱ्या मनशाक पळोवंक तरसलेलो. सभाग्या तुका खऱ्यानीच पिशें लागलां काय म्हज्या सारकीच तुजीय गत केल्या?"

दान्तेन ताका आपली कर्मकाणी सांगली आनी म्हळें, "चौदा वर्सां जालीं म्हाका हांगा आयल्यार. पूण हांगा हाडपासारकें हांवें कितें केलां हें म्हाका कळूंक ना."

"हांव सांगतां तुजो गुन्यांव". म्हाताऱ्यान हांसून म्हळें. "पिशा, तुवें आतां तोंडांतसून नुआर्तियो नांव उच्चारलेलें. तेंच नांव तुका बंदखणींत

उडोवपाक कारण जालां. नुआर्तियो हो नेपोलियनाचो बरो मागपी. म्हळ्यार आठव्या लुईचो दुस्मान. आनी आठवे लुईचो मनीस व्हियेफोर, हो खासा नुआर्तियोचो चलो. तुवें जर आपणें एल्बा बेटावयल्यान नुआर्तियोखातीर एक चीट हाडिल्ली अशें कोणाकूय म्हणिल्लें जाल्यार आज हांगा तुजे जाग्यार व्हियेफोर आसपाचो."

चौदा वर्सां उपरांत पयलेच खेपे दान्तेक आपणाक बंदखणींत उडोवपा फाटलें कारण कळिल्लें. म्हातार्‍यालो तर्क खरो आसा म्हणपाचें ताका पटलें. आनी तो मनीस तकलेन हुशार आसा म्हणपाचेंय जाणवलें. "तुवें कितें गुन्यांव केला?" अशें जेन्ना ताणें विचाल्लें तेन्ना म्हातार्‍यान ताका सगळी गजाल सांगली.

ताचें नांव फारिया आशिल्लें. इटालींत कार्डीनल स्पादाच्या एका वारसाकडे तो नोकरेक आशिल्लो. स्पादाकडे अलोट संपत्ती आशिल्ली. पूण ताच्या वायट नशिबान पोपाची नदर जेन्ना तागेल्या धनाचेर गेली तेन्ना तो भिलो आनी ताणें आपलें सगळें धन 'मॉंट क्रिश्टो' नावाच्या बेटार एका गुप्त जाग्यार लिपोवन दवरलें. त्या जाग्याचो नकाशो आनी तेव्रिशींची सगळी म्हायती बरयल्लो एक कागद ताणें आपल्या वारसांखातीर दवरलो. फुडें स्पादा आनी ताचो पूत पोपाच्या कारस्थानांत बळी गेले. आनी ताणीं बरोवन दवरलेलो कागद तागेल्या वारसाक मेळ्ळोना. त्या वारसागेर भुरगेंबाळ नाशिल्ल्यान मरचे वेळार ताणें आपली सगळी इस्टेट फारीयाच्या नांवार केली.

एके रातीकडेन दिव्याच्या उजवाडांत फारीया पोन्नी कागदपत्रां वाचूंक बशिल्लो. एक कागद चुकून त्या दिव्याचे जोतीक लागून पेटलो आनी त्या पेटिल्ल्या कागदार कांय अक्षरां उदेलीं. फारीयान तो बेगींबेगीन वाटयलो. जेन्ना ताणें तो वाचलो तेन्ना स्पादान 'मॉंट क्रिश्टोचेर पुरिल्ल्या धनाविशीं' बरोवन दवरलेलो तोच तो कागद म्हणपाचें ताका कळ्ळें.

जळून गेल्ल्या जाग्यार ताणें दुसऱ्या कागदाचो कुडको चिकटायलो आनी आपलें तकलेन तो मागलो वगावन काडलो.

फ्रांसांत तेन्ना नेपोलियन राज्य करतालो आनी इटालीचें वांटप करपाविशीं फ्रान्साच्या आनी इटालीच्या अधिकाऱ्यांमदीं उलवणी चलतालीं. फारियाचो त्या विभाजनाक खर विरोध आशिल्लो. म्हणून सरकारी शिपाय ताचेर नदर दवरून आशिल्ले. जेन्ना तो स्पादाचें धन हातासपाखातीर धावपळ करूंक लागलो तेन्ना सरकारी शिपायांक तो सरकाराविरूध्द कट करता असो दुबाव आयलो आनी तांणीं ताका शातोदीकाचे बंदखणींत उडयलो. ताणें तांका आपणें कसलोच कट करूंक ना अशें कळवळून सांगलें, पूण तांणीं ताच्या सांगण्याकडे आडनदर केली.

“म्हाका बंदखणींतल्यान सोडशात जाल्यार हांव तुमकां दोन लाख डॉलर दितां” अशें ताणें बंदखणीच्या राखणदारांक सांगलें. पूण तांणीं तें फकाणांचेर व्हेलें. मागीर ताणें रक्कम वाडोवन पांच लाख डॉलरांचेर व्हेली आनी आपणाक खजिनो मेळपाचो आसा हीवूय गजाल तांकां सांगली. तागेल्या सांगण्याचो उरफाटो परिणाम जालो आनी तांणीं ताका पिसो थारावन पिशांच्या कुडांत घालो. भुंयार खणून पळून वचपाचें ताणें थारायल्लें.

दान्ते तागेली गजाल थंडसाणीन आयकतालो. मॉंट क्रिश्टोवयल्या खजिन्याची गजाल खरी काय म्हणून ताणें विचाल्लें तेन्ना फारियान ताका तो कागद दाखयलो आनी खात्री पटयली.

खूप वर्सां बंदखण भोगून फारिया सामको अशक्त जाल्लो. मदीं मदीं ताका वायट येतालें. ताचेकडे आशिल्ल्या वखदाचो हालीं ताका गूण येनाशिल्लो. जेन्ना आपूण चड तेंप वांचचोना अशें ताका दिसलें तेन्ना ताणें दान्तेक तो गुप्त कागद दिलो. आनी केन्ना काळाक

बंदखणींतल्यान भायर गेलो जाल्यार गुप्त धन सोदून काडपाक सांगलें.

भायर वचूंक मेळल्यारूच दान्तेक त्या कागदाचो उपेग आशिल्लो. पूण भायर वचूंक मेळत हाचीच आशा नाशिल्ली. पूण एक दीस ताचें नशीब उजवाडलें. फारिया तागेल्या कुडांन मेलो आनी तागेल्या मड्यान ताका भायर वचपाची वाट दाखयली. ताचें अशें जाल्लें.

तो जेन्ना सदचे भशेन फारियाच्या कुडांत गेलो तेन्ना ताका थंय फारिया मेल्लो दिसलो. तो भितर आसतनाच भायर राखणदारांचीं पावलां वाजलीं म्हणून तो भुयारांत लिपलो. राखणदारान जेन्ना फारियाक मेल्लो पळयलो तेन्ना ताचो विलो करपाखातीर ताणें आनीक एका राखणदाराक आपयलो आनी बराबर एक साक हाडलो. दोगांनीय मेळून फारियाचें मडें साकांत घालें आनी तो साक शिंवलो. भरतेक मातसो वेळ आसा म्हणून ताणीं तो साक थंयच सांडलो आनी ते दुसऱ्या कामांक गेले.

दान्ते तें सगळें लिपून पळयतालो. राखणदार भायर गेले तसो ताणें वेळ करिनासतना साकांतलें फारियाचें मडें भायर काडलें आनी भुंयारांतल्यात आपल्या कुडांत व्हरून बाजेचेर न्हिदयलें. कोणाक दुबाव येवं नये म्हणून ताणें मड्याचेर पांगरूण घालें. आनी परतून फारियाल्या कुडांत येवन तो रिकाम्या साकांत गेलो. कांट्याच्या दाबणान ताणें साकाचें तोंड शिंवलें, आनी तो राखणदारांची वाट पळोवंक लागलो.

दरयाक भरती आयली तशे राखणदार आयले आनी तो साक उबारून घेवन गेले. दोन तीन झेल दिवन ताणीं तो साक दरयान शेवटून माल्लो आनी ते परतले. मातसो वेळ वतकच दान्तेत आपल्याकडे आशिल्ल्या कंवचेच्या कुडक्यान तो सांक पिंजलो आनी तो भायर आयलो.

उदकामुळच्यान पेंवत पेंवत तो खूप पयस दरयाच्या दुसऱ्या तडीक गेलो. भिजिल्ले कपडे ताणें पिळून सुकयले. आनी चलत चलत तो



पसयुल्ल्या एका मोडणार वचून ते वटेन वतल्या तारवाची वाट पळेत बसलो.

ताका एक तारूं दिसलें. पूण त्याच खिणाक एक व्हड मांड आयलें आनी तें तारूं एका व्हडल्या तळपाक आपटून फुटलें. तातुंतले चार खलाशी आनी एक तांडेल मेळून पांचूय लोक मेले आनी तांचीं मडीं तडीक येवन पडलीं.

दान्तेन तातुंतल्या एका खलाशाचे कपडे आंगार चडयले आनी माथ्यार तोपी दवरून तो दुसऱ्या तारवाची वाट पळेत बसलो. कांय वेळान ताका एक तारूं दिसलें पूण तें चड भायल्यान वतालें. एका फळकुटाच्या आदारान तो पेंवत पेंवत तारवाचे दिकेन गेलो आनी माथ्याची तोपी हालोवन मोठ्यान हुयेल्यो मारूंक लागलो. तारवावयल्या तांडेलाची नदर ताचेर गेली तशें ताणें तारूं थारावंक लायलें आनी ताका

वयर घेतलो.

आपलें तारूं तळपाक आपटून फुटलें आनी आपूण एकटोच वांचलों अशें ताणें तांडेलाक सांगलें. ताच्या आंगावयलो खलाशाचो पोशाख पळोवन तांडेलाक ताचें सांगप खरें दिसलें आनी ताका खावंक जेवंक दिवन ताणें आपल्या तारवार नोकरेक दवरलो.

आपली सुकाणें धरपाची कला ताणें तांडेलाक दाखयली तेन्ना तांडेलान खोशी जावन ताचेकडे सुकाणू धरपाचें काम सोंपयलें.

तागेलें तारूं व्हांवोवपाचें आशिल्ल्यान ह्या बंदराकसून त्या बंदराक अशो एकसारक्यो खेपो घालतालें. काय वेळां तें 'मॉंट क्रिश्टो'बेटा म्हऱ्यांतल्यान वतालें. तें बेट दिसलें म्हणटकच दान्ते मनांत म्हण्टालो, "म्हाका हांगां देवूंक मेळ्ळ्यार कितलें बरें जातलें?" पूण तागेले मनांतले विचार मनांतूच उरताले आनी तारूं मात फुडें वतालें. पूण एक दीस ताची इत्सा सफळ जाली.

तारवाक वाटेंत इल्लेंशें काम आसलें म्हणून तांडेलान तें 'मॉंट क्रिश्टो' बंदराक लावंक लायलें. सगळे खलाशी थंय देंवले. तारवाचें काम सोंपतकच ते सगळे ताचेर चडले. पूण ज्युस्त वचचे वेळार दान्ते एका तळपावयल्यान निसल्लो आनी सकयल पडलो. ताचो पांय दुखावलो. चलूंक येना असल्या अवतीकायेंत तारवार येवंचें वाट्याचो आपूण हांगांच रावतां आनी तुमी परतून वतना तारवार चडटां अशें ताणें तांडेलाक सांगलें.

ताचो पांय खऱ्यानीच दुखावला आनी ताका चलूंक येनां हें पळोवन तांडेलान ताका थंय रावपाक मान्यताय दिली आनी ताचेखातीर थोडोसो जेवो दवरून आनी वेळा प्रसंगाक उपकाराक [illegible] खातीर एक फावडें ताचे सुवादीन करून ताणें तारूं फुडें तांडलें.

दान्तेन तळपावयल्यान [illegible]पाचें काम हबेहब [illegible], कोणाक

WORLD KONKANI CENTRE
४१८

ताचो दुबाव आयलोना. ताका पुडें गेलें म्हूण तो रोकडोच पुरो धन सोदपाच्या कामाक लागलो.

फारियान ताचेकडें दिल्लो कागद पळपाच्या वांचाल्यांत म्हूण तो शेणिल्लो. पूण ताचे वयलें सगळें बरप ताणें तोंडपाट केल्ल्यान धन सोदपाच्या कामांत ताका चडशी अडचण आयलोना.

ताणें सगळें बेट पालथें घालें. थंयच्यो धोंडी आनी भुंयगां तपासलीं आनी निमणें ताच्या प्रयत्नाक एकदाचें यश मेळ्ळें. फारियान ज्या जाग्यार खजिनो पुरिल्लो तो जागो ताका मेळ्ळो.

ताणें फावडें घेवन थंयचो जागो उखलो. आनी एका व्हडल्या तळ्या मुळच्यान धन आशिल्ली पेट उखलून काडली. ती पेट ताणें जेन्ना उगडली तेन्ना भितल्लीं रत्नां माणकां पळोवन ताचे दोळे दिपकाले. त्या धनाचें मोल कोट्यांनी डॉलर आशिल्लें. त्या सगळ्या धनाचो तो आतां एकटोच धनी आशिल्लो.

त्या धनाच्या नेटार ताणें मॉंट क्रिश्टो बेट विकत घेवंक जातालें आनी ताचो जागिरदार म्हणून मिरवंक येतालें.

ताचे इत्सेप्रमाण एक दीस तो मॉंट क्रिश्टोचो जागिरदार जालो.

***

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
४१५

डॉ. जेकील आनी मि. हाइड

संवसारीक बरपावळींच्या मळार जीं कांय पुस्तकां चड गाजल्यांत तांचेमदीं 'रॉबर्ट लुई स्टिवन्सन' हांगेल्या 'डॉ. जेकील आनी मि. हाइड' ह्याय एका पुस्तकाचो आस्पाव जाता. जाण्ट्यांनी आनी भुरग्यांनी सारकीच रूचीन वाचची इतली सुंदर ती नवलिका आसा.

मनीस कितलोय बुदवंत आसलो आनी ताणें आपले बुद्दीच्या नेटार एखादो नवो प्रयोग करून आपले कुडीक आपूण जाय तशी जियोवंक लायतलों अशें म्हळें जाल्यारय तागेली ती अविचारी करणी निमणें ताच्याच नाशाक कशी कारण जाता, तें हे नवलिकेंत लेखकान बेस बरें दाखयलां.

रिचर्ड एनफिल्ड आनी ताचो मावशेभाव डॉ. उटर्सन एक दीस भोंवपाक गेल्लेकडेन आडकुशीक आशिल्ल्या एका घराकडेन पावले. तें घर पोन्न्या बांदावळीचें आशिल्लें आनी ताच्या वर्ण्टीचो चुनो कांय जाग्यार निखळून पडिल्लो. त्या घराकडे पळेतकच एनफिल्डाक सट्ट करून एके गजालीची याद जाली आनी ताणें म्हळें,

"एक दीस हांव ह्याच घराकडल्यान वतना हाइड नांवाचो एक मनीस एका सान भुरग्याक मस्तून मस्तून मारतालो. तो भुरगो जिवाच्या आकांतान हुयेल्यो मारतालो पूण त्या दुश्ट मनशाक ताची मात्तूय काकुळट



येनाशिल्ली. हांव एकटोच आशिल्ल्यान ताच्या आंगार वचपाचें हांवें धाडस केलेंना. निमणें गांवांतले लोक थंय धावंत आयले आनी ताणीं त्या भुरग्याक वाटायलो. भुरग्याक माल्लो म्हणून ताणीं हाइडा कडल्यान दंड वसूल केलो. आनी ते पयशे त्या भुरग्याक दिले. हाइड, तोंड सामकें काळें करून, थंयसून गेलो. म्हज्या हिसपान ताका इल्ली चड ख्याम्न फाव जाताली.

एनफिल्डाली गजाल आयकतना 'हाइड' हें नांव आपणें हाचे पयलीं खंयतरी आयकलां अशें उटर्सनाक दिसलें. मातशें येवजिनकच ताका ती याद जाली.

ते वकील आशिल्ल्यान, डॉ. जेकील नांवाचो एक मनीस एकदां तांकां मेळूंक आयिल्लो. आनी ताणें आपली सगळी इस्टेट फाटल्यान हाइड नांवाच्या मनशाक मेळची अशेतरेची कागदपत्रां तयार करपाक

सांगिल्लें.

ती याद जातकच हाइड हो कोण मनीस आनी तो खंय रावता हें समजून घेवपाचें ताणीं थारायलें. थंयच्या लोकांकडे ताणीं ताचेविशीं विचाल्लें पूण कोणूच ताचो नामो दिवंक शकलेना. तो खंय रावता हें कोणाकूच खबर नाशिल्लें. मागीर ताणीं डॉ. जेकीलाक मेळून ताचेकडल्यान ताचो नामो घेवपाचो थारायलें.

ते जेन्ना जेकीलासरीं गेले तेन्ना ताणें हाइडाविशीं सांगपाक तांकां न्हयकार दिलो. "म्हजे फाटल्यान म्हजी सगळी इस्टेट हाइडाक मेळूंक जाय. हाचे पयल्यान म्हाका ताचेविशीं कितेंच उलवपाचें ना." अशें सांगून ताणें तोंड घुंवडायलें.

डॉ. जेकीलाचो तो वर्ताव पळोवन उटर्सनाक अजाप जालें. ताणें अशें कित्याक सांगचें हें ताका समजलेंना. निमणें ताणीं, "हाइड हो दादागिरी करपी मनीस आसतलो आनी तो आपलें किदेंय वायट करीत म्हणून ताजेविशीं उलवपाक ताणीं न्हयकार दिला जातलो" असो मनाचो समज घालो आनी ते वगी रावले.

कांय तेंप गेलो आनी परतून एकदां हाइडालें नांव गाजूंक लागलें. कर्‍हू नांवाच्या एका म्हाताऱ्याक ताणें जिवो माल्लो असो गांवांत बोवाळ जालो. कर्‍हूक मारतना ताका जाणीं पळेल्लो ताणीं पोलिसथाण्यार ताची कागाळ केली. पोलीस ताका धरपाक आयले पूण तो तांकां मेळ्ळोना. तो खंय गेलो हेंवूय कोणाक कळ्ळेंना. एकाएक अदृश्य जावंचो तसो तो खंय तरी नाच्च जाल्लो.

पोलीसांभशेन उटर्सनूय गोंदळांत पडिल्ले. वासपूस करूनय हाइड हो कोण मनीस हें तांकां अजून कळूंक नाशिल्लें. कांयच गुन्यांव करिनासतना तो लोकांक कित्याक पिडटा हेंवूय ताका समजनाशिल्लें. तो एकाएक गुप्त जाल्ल्यान ते सामकेच निर्शेल्ले.

अचकीत एक दीस डॉ. जेकील एक चीट घेवन पुलीस थाण्यार गेलो. ती चीट ताका हाइडाकडल्यान आयिल्ली. ती वाचून पुलीस इन्स्पेक्टर लेगीत गोंदळांत पडलो. ते चिटींत अशें बरयल्लें,

"हांव हाचेफुडें तुमकां कन्नाच मेळूंक सोदिना. तुमीय म्हजो सोद घेवंचो न्हय. म्हजेखातीर तुमकां कश्ट जाले हाचें म्हाका चड वायट दिसता. तुमचो हाइड."

चिटींतल्या उतरांनी हाइडाविशींच्या गुपीतांत आनीकूय भर घाली.

डॉ. जेकीलाक ती चीट आयिल्ली. त्याच सुमाराक डॉ. उटर्सनाचे एक वकील इश्ट, डॉ. लेन्यून हे अचकीत आताक जावन मेले. तांगेल्या कागदपत्रांनी डॉ. उटर्सनाच्या नांवान बरयल्लो एक लाखोटो आशिल्लो. ताका सील आशिल्लें आनी ताचेर डॉ. जेकीलाच्या मरणां उपरांत उगडचो अशें बरयल्लें. उटर्सनानी तो उगडीनासतना तसोच आलमारींत दवरलो.

कांय दिसां उपरांत उटर्सन परतून एकदां त्या पोन्न्या घराकडल्यान वतना तांकां डॉ. जेकील एका जनेलांत बशिल्लो दिसलो. उटर्सनाक पळेनाफुडें तो लिपलो आनी ताणें बेगीबेगीन जनेल धापलें. उटर्सनाक तागेल्या त्या कर्तुबाचो दुबाव आयलो म्हणून ताणीं त्या घराच्या संवसारान थंयच्या लोकांकडे वासपूस केली.

त्या घरांत डॉ. जेकीलाची प्रयोगशाळा आसा आनी तो एकटोच थंय प्रयोग करता म्हणपाचें तांकां कळ्ळें. त्या घराक फुडल्यान एकूय दार ना. फकत फाटल्यान एक ल्हानशें चोरदार आसा, अशेंय थंयच्या लोकांनी तांकां सांगलें.

डॉ. जेकीलाचे प्रयोगशाळेविशीं आनी ते थंय जे प्रयोग करताले ताचे विशीं उटर्सनाक मोठेंच गूढ जालें. ते जितले सत सोदून काडपाचो प्रयत्न करताले तितलें सत तांच्यापासून पयस पयस धांवतालें.

एक दीस ते घरांत वाचूंक बशिल्लेकडेन डॉ. जेकीलाचो 'पूल'

नावाचो मानाय तांकां सोदीत आयलो. तो सामको काचाबूल जाल्लो आनी ताणें आपल्या हातांत एक कागदाचो चिटारो घट्ट धरिल्लो.

"चार दीस जाले, म्हजो धनी घराभायर येवंक ना. दार धापून भितरच बसला. आपलें जेवण लेगीत ताणें दाराभायर दवरूंक लायलां. आज जेवण दवरूंक गेल्लेकडेन म्हाका मेजार हो तुमच्या नांवांन बरयल्लो चिटारो मेळ्ळो." अशें म्हणून ताणें हातांतलो चिटारो उटर्सनाकडे दिलो.

त्या चिटाऱ्याचेर बाजारांतसून हाडपाच्या कांय वखदी वस्तूंचीं नांवां बरयल्लीं. तीं वाचून उटर्सन ह्यो वस्तू जेकीलाक कित्याखातीर जाय काय? अशें यवजूंक पडले. इतल्यांत पूलान भियेत भियेत फुडें म्हळें,

"म्हाका जाल्यार धनयांचो हुस्को जाला. ताका जिवो मारून दुसरोच कोण त्या घरांत रावूंक ना मूं?"

पूलाल्या त्या उतरांनी उटर्सनाकूय तसोच दुबाव आयलो आनी "चल, पळोवया कितें जालां तें?" अशें म्हणून ते पूलाबराबर डॉ. जेकीलाच्या प्रयोगशाळेकडे गेले.

ताणीं चोर दार वाजयलें. उलो घालो, पूण कोणेंच दार उगडलेंना. न्हय, हूं काय चूं केलें ना. ताणीं मातसो वेळ वाट पळेली आनी मागीर दार फोडपाचें थारायलें

कुराडीन दार फोडून ते भितर गेले. दारांतूच एक प्रेत पडिल्लें. पूण तें जेकीलाचें नाशिल्लें. पूलाकडसून तें हाइडाचें म्हणपाचें कळ्ळें. जेकीलाक ताणी सगळ्याक सोदलो पूण तो खंयच मेळ्ळोना.

"जेकीलाचें कितें जालें काय?" अशें मनांत म्हणत, उटर्सन हाइडच्या प्रेता म्हऱ्यांत गेले. थंय तांकां दोन लाखाटे मेळ्ळे. एकाचेर त्याच दिसाची तारीक आशिल्ली. ताणीं तो फोडलो आनी भितल्ली चीट वाचली. डॉ. लेन्युनाकडे आशिल्लो तुमच्या नांवाचो सील केल्लो लाखाटो वाचचो



अशें ते चिटींत बरयल्लें. दुसरो लाखोटो म्हळ्यार तागेलो कबुली जबाब आशिल्लो.

हाइडच्या प्रेतासंबंदान उटर्सनानी पोलीसांक कळयलें आनी दोनूय लाखाटे घेवन ते घराकडे आयले. ताणीं आलमारींतलो लाखोटो भायर काडलो, आनी ताचें सील तोडून भितल्ली चीट वाचली. ते चिटींत डॉ. लेन्युनानी अशें बरयल्लें.

डॉ. जेकीलान तागेल्या मानायाकडसून एक दीस म्हाका एक चीट धाडली. आपल्या प्रयोगशाळेंत वचून जाता तितल्या बेगीन हे चिटीर बरयलां तें वखद घेवन पोरसांत येवंचें, अशें ते चिटीर बरयल्लें. वखद घेवन हांव जेन्ना पोरसांत गेलों तेन्ना म्हाका थंय हाइड मेळ्ळो. हांव दिसनाफुडें ताणें म्हज्या हातांतली वखदाची बाटली झोंबून घेतली आनी म्हज्या फुड्यांतूच तो तें वखद पिलो. इतल्यांत थंय एक अजाप घडलें. हाइडच्या जाग्यार डॉ. जेकील जालो. तें पळोवन म्हज्या मनाक खर धपको बसलो, आनी तेन्नाच्यान हांव वायटकार जावन सामको मरणाक

तेंकलां. पळेल्ली गजाल हांवें कोणाक सांगची न्हय म्हणून जेकीलान म्हजे पांय धल्ले. इश्टागतीक लागून हावेंय ती गजाल कोणाक सांगलीना. पूण तुमचेखातीर ही चीट बरोवन दवरल्या आनी जेकीलाचे मान्यतायेनूच ताचे मरणां उपरांत उगडची अशें तिचेर बरयलां.

उटर्सनानी ती चीट कुशीक दवल्ली आनी हाइडच्या प्रेता म्हऱ्यांत मेळिल्लो कबुलीजबाबाचो लाखाटो उगडलो. कबुलीजबाब वाचतकच जेकील आनी हाइड हांचें कुवाडें तांकां पुरायेन सुटलें.

डॉ. जेकीलाक ल्हानपणांतसून दोट्टी जीण जियेवपाची आवड आशिल्ली. एकाच मनशाभितर दोन व्यक्तिमत्वां आसतात आनी मनशान तांचो बरे भशेन विकास केलो जाल्यार ताच्यान तीं दोनूय व्यक्तिमत्वां जियेवंक जातात अशें तो म्हण्टालो.

विज्ञानाची पदवी घेतकच ताणें गांवांभायल्या त्या पोन्न्या घरांत प्रयोगशाळा उगडली आनी मनशांच्या व्यक्तिमत्वांसंबंदान प्रयोग करपाक सुरवात केली. कांय वर्सां प्रयोग करून ताणें एक अजापाचें वखद सोदून काडलें. तें वखद पितकच मनशाचें रूप पालटटालें आनी ताका दुसरें व्यक्तिमत्व प्राप्त जातालें. तें वखद पियोवन तो जेकील आनी हाइड अशा दोन रूपांत वावुरतालो.

डॉ. जेकीलाच्या रूपांत आसतना तो बऱ्या समाजांत सभ्य मनशाभशेन वावुरतालो जाल्यार हाइड जातकच, मारामारी, खून असलीं बुरशीं कामां करतालो. त्याच रूपांत आसतना ताणें एका सान भुरग्याक मस्तिलो आनी कऱ्हूचो जीव घेतिल्लो.

रूप पालटितना जेकीलाक पयलीं पयलीं खोस भोगताली. पूण थोडो तेंप वतकच, रूप पालटपाची गजाल ताच्या हातांत उल्लिना. वखद पियेनासतनाच तो हाइड जावंक लागलो आनी परतो जेकील जातलो जाल्यार ताका वखदाची गरज पडूंक लागली.

एक दीस पोरसांत गेल्लेकडेन तो हाइड जाल्लो. मागीर ताणें मानायाकडसून डॉ. लेन्यूनाक एकाद धाडून प्रयोगशाळेंतल्यान वखद हाडून घेतलें आनी ताचे कुडयांत तें पियेवन तो जेकील जाल्लो.

मनांत नासतनाय परतो परतो जेकील जावंक लागतकच तो सामको बेजारलो. वखद तयार करपाक लागतल्यो वस्तूय हालीं बाजारांत दुर्मीळ जाल्यो. जेकील म्हणून आपलो अवतार सोंपलो आनी हाइड म्हणून आपणाक जियेवंचें पडलें जाल्यार, आपली इस्टेट दुसऱ्या कोणाय वचचीं न्हय म्हणून ताणें उटर्सनाकडल्यान जेकीलाची इस्टेट ताच्या फाटल्यान हाइडाक मेळची अशीं कागदपत्रां करून घेतिल्लीं.

चार दिसा पयलीं तो प्रयोग शाळेंत गेल्लेकडेन हाइड जाल्लो आनी परतून जेकील जातलो जाल्यार ताचेकडलें वखदूय सोंपिल्लें. आपलें गुपीत कोणाक कळचें न्हय म्हणून तो चार दीस दार धापून भितरूच बशिल्लो आनी ताणें आपलें जेवणूय भायर मेजार दवरूंक लायिल्लें. पूल लागीं ना सो पळोवन ताणें वखद तयार करपाक लागतल्या वस्तूंची एक वळेरी कागदाच्या चिटाऱ्याचेर बरयल्ली आनी ताचेर उटर्सनाचें नांव घालून तो मेजार दवरलेलो.

त्यो वस्तू बाजारांत मेळत म्हणपाची ताका खात्री नाशिल्लीच आनी जेन्ना उटर्सन पूलाबराबर येवन दार बडोवंक लागले तेन्ना आपलो अवतार सोंपलो म्हणपाची ताका जाणविकाय जाली. हाइडाच्या रूपांत आपूण लोकांक मेळ्ळों जाल्यार केल्ल्या कर्तुबाखातीर आपणाक बंदखण फाव जातली हें ताका खबर आशिल्लें म्हणून ताणें बेगीबेगीन कबुली जबाब बरोवन दवरलेलो आनी वीख पियेवन मरण लागीं केल्लें.

***

एक काणी दोन शारांची

***चार्ल्स** डिकन्स हे खूप व्हड साहित्यकार जावन गेले. इंग्लेज बरपावळींत तांचें नांव भांगराच्या अक्षरांनी बरयल्लें आसा. तांच्या पुस्तकां भितर 'अ टेल ऑफ टू सिटीज' ही नवलिका चड गाजल्या. ती वाचतना, वाचपी एका वेगळ्याच विश्वांत वावरूंक लागता. तें विश्व आसता मोगाचें, त्यागाचें , सुडाचें आनी हौतात्म्याचें. सगळ्या रसानी उफाट भरिल्ली ही नवलिका म्हळ्यार धर्तरेवयलें एक लाख मोलाचें रत्न म्हणूंक येता.*

फ्रान्साचेर सोळावो लुई आनी इंग्लंडाचेर तिसरो जॉर्ज जेन्ना आपलो शेक चलयताले तेन्ना युरोपांतल्या त्या दोन व्हड राश्ट्रांमदले संबंद चडशे इश्टागतीचे नाशिल्ले. त्या दोनूय राश्ट्रांतलें ते राजे, आपणाक फाव जाल्लें राज्य, सत्ता आनी पयसो निरंतर काळाक आपणाकडेच उरतलो अशें समजून कारभार चलयताले. ताका लागून त्या राज्यांनी न्याय, नीत ह्यो गजाली चड दुर्मिळ जाल्ल्यो. लागीं लागीं नाशिल्ल्योच म्हळ्यार जाता. जनतेच्या पयशांचेर बेनुल्ले भाशेन पोसपी सरकारी अधिकारी आनी जागीरदार हांकां मात त्या राज्यांतलो कारभार बेस बरो चल्ला अशें दिसतालें.

अंदाधुंदीच्या कारभाराक लागून तसल्या लोकांक आपलो फायदो

करून घेवपाच्यो थंय चड संदी मेळटाल्यो. पूण हेर लोकांच्या मनान मात तो काळ सामकोच वायट आशिल्लो. कोण, केन्ना, कसो आनी खंयच्या निमतान बंदखणींत वचत हें कळपाक कठीण जाल्लें. आपल्या इल्ल्याश्या सुवार्थाखातीर चाडयो करून आनी फटींचे आळ घालून कोण, कोणाक, कसो तरासांत उडयत हे त्या काळांत कोणाच्यान सांगूंक जावंचे नाशिल्लें.

सुवार्थी आनी फटकिरे लोक त्या परिस्थितीचो लाव घेवन आपणाक नाका आशिल्ल्या लोकांचेर राष्ट्रद्रोहाचो फटीचो आळ घालताले आनी तांकां कोर्टामुखार धुकळटाले. तशें केल्ल्यान आपूण व्हड राष्ट्रभक्त म्हणून तांकां सरकाराच्या फुड्यांत मिरोवंक मेळटालें. अशा त्या कठीण काळांत इंग्लंडांतल्या 'ऑल्ड बेली' कोर्टांत एक खटलो गाजतालो.

एव्हरमॉंड अर्ने नावाचो एक तरनाटो राष्ट्रद्रोहाच्या आरोपाक लागून कोर्टामुखार उबो आशिल्लो. ताणें वैऱ्याकडे पत्र व्यवहार केला असो ताचेर आरोप दवरलेलो आनी तो आरोप खरो थारावपाखातीर तशी

गवाय दिवपी लोक फिर्यादीन कोर्टामुखार उबे केल्ले.

आरोपीचे वकील स्ट्रायव्हर हाणीं गवायदारांक आडवे तिडवे प्रश्न विचारून ताका गोंदळायले आनी ते फटीचे म्हणपाचें ज्युरीक पटयलें. डार्नेची त्या खटल्यांतल्यान निर्दोश सुटका जाली. मि. कार्टन नावाच्या एका तरनाट्या वकिलान त्या खटल्यांत स्ट्रायव्हरांक व्हड आदार दिल्लो. ताका लागूनच डार्ने सुटिल्लो म्हळ्यार जाता.

त्या काळांत राष्ट्रद्रोहाचो आरोप आशिल्ल्याक व्हड ख्यास्त जाताली. गोळाक लावंचे पयलीं ताचे हात पांय तोडटाले. हाल हाल जावन मरतल्या त्या बंद्याक पळोवंक बायलांचे आनी दादल्यांचे चोंबे, त्या जाग्यार जमताले. कोर्टांत खटलो चलतनाय तो आयकपाक तशीच खेट आसताली. त्या दिसाय कोर्टांत लोकांची आकांताची भीड जमिल्ली.

'डार्नेक आतां ख्यास्त जातली' हें येवजून फुडले रांगेत बशिल्ले एके तरनाटे चलयेक घुंवळ आयली. तिचे म्हऱ्यांत बशिल्ल्या टेक्सास बँकेच्या मॅनेजरान - जेर्वीस लॉरीन, कार्टनाच्या आदारन तिका सावशीक केल्ली. डार्नेची मुक्तताय जातकच सगळ्यांत चड खोशी तिकाच जाल्ली. तो मुक्त जाल्ल्याचें आयकतकच तिच्या दोळ्यांतल्यान खोशयेचीं दुकां गळूंक लागलीं. डार्नेच्या देखण्या रूपाचेर आनी ओड लावपी व्यक्तिमत्वाचेर भुलून ताच्या मोगान पडिल्ली ती ल्युसी मॅलेट आशिल्ली.

ल्युसीचो बापूय डॉ. मेलेट हो आतां जाण्टो जाल्लो. फ्रान्सांत ताणें वीस वर्सां बंदखण भोगिल्ली. थंय ताचो आकांताचो छळ जाल्लो आनी त्या छळाक लागून, तांचे तकलेचेर परिणाम जावन ताची अवतीकाय पिशाभशेन जाल्ली. तांकां खावपा-जेवपाची, न्हिदपाची, कसलीच शाबूद नासताली.

तांकां बंदखणींत उडयतकच, दुःख सोसूं नज जावन तांचे बायलेन प्राण सोडिल्लो आनी तांची एकली एकसुरी चली, ल्युसी उबंत पडिल्ली.

मिस प्रॉस नांवाच्या तांच्या घरांत काम करतले बायलेन तिच्या आपल्या धुवेभाशेन सांबाळ केल्लो.

डॉ. मॅनेटाचे एक इश्ट, टॅलसास बँकेचे मॅनेजर जॅर्विस लॉरी हाणीं सान ल्युसीक आनी मिस प्रॉसाक फ्रान्सांतल्यान सारगीर इंग्लंडाक व्हेली. आनी डॉ. मॅनेट बंदखणींतल्यान सुटकेच दाका ताच्या आदारान तांकाय इंग्लंडाक व्हरून, तांचे धुवेक भेटयल्लें.

थतरविंतर जाल्ले डॉ. मॅनेट ल्युसीच्या सांगातान मातशें मनांत येवंक लागिल्ले. मिस प्रॉस तांकां वेळार खावय जेवयताली आनी भुरग्याभशेन न्हिदयताली. ताका लागून तांच्या आंगांत इल्लें इल्लें बळ येतालें.

एव्हरमाँड डार्ने तांकां लागींच रावतालो. थंय तो इंग्लीश भुरग्यांक फ्रेंच भास शिकयतालो. मदीं मदीं तो डॉ. मॅनेटागेर येतालो आनी ल्युसीकडे गजाली करूंक बसतालो. तीं दोगांय गजाली करूंक लागलीं म्हणटकच तांच्या मोगाक उमाळो येतालो.

नव्यानूच वकील जाल्लो, कार्टनूय मॅनेटागेर येतालो. ताच्याय मनांत ल्युसीविशीं मोग उप्रासलेलो. पूण ल्युसी डार्नेचेर मोग करता हें कळटकच तो निर्शेवन फाटीं सरिल्लो. फकत एकदांच ताणें भावनावश जावन तिचेकडे आपल्या मोगाचो उच्चार केल्लो. पूण रोकडेंच आपूण उलयलों ते विसरून वच अशें ताणें तिका सांगिल्लें. आनी हाचे फुडें आपल्या मनांत तिचेविशीं कसलोच वायट विचार येवचोना अशें उतर दिल्लें.

ताका सोऱ्याचें वेसन आशिल्लें आनी ल्युसीवयलो मोग निर्फळ जायत सर तें चडूच वाडिल्लें. एकेकदां तो सामकोच बेबदो जातालो. तेन्ना ताका खावपा-जेवपाचें आनी मुस्तायकेचें लेगीत भान नासतालें. तो तकलेन हुशार आनी मनान निर्मळ आशिल्लो. आपलो म्हळो

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 001228



ताचेखातीर प्राण दिवपाचो सभाव आशिल्लो. कोर्टाच्या कामांत तो स्ट्रायव्हराक आदार करतालो.

सोळाव्या लुईच्या काळांत फ्रांन्सांतले सावकार आनी भाटकार चडूच मदांद जाल्ले. ते गरिबांचेर मेळत तशे अत्याचार करताले. मनशाचो जीव म्हळ्यार तांकां किंकोत दिसतालो. मार्क्विस हो जागीरदार तसल्या लोकांचो मुकूटमणीं सोबपासारको आशिल्लो. एक दीस ताणें घोड्याचे गाडयेन वतना, कुळंब्याच्या एका सान भुरग्याक चिड्डीलो. लोकांनी बोबाट माल्ली तशी ताणें एक भांगराची म्होर भुरग्याच्या बापायचे दिकेन भिरकटायली आनी गाडी तशीच फुडें धांवडायली. तागेलें मनीसपणाक लज हाडपी तें कर्तूब पळोवन दार्फाजाच्या बार्राचेर जमिल्ल्या लोकांनी

गगान दांत ओंठ चाबले. मार्क्विसाचें आपणाल्यान कांयच वाकडें करूंक जायना म्हणून ते मनांतल्यान निर्शेल्लें.

निर्शेवंक नाशिल्लो वर्गाचो धनी दार्फोंज. अशें कितेंय घडटलें म्हणटकच ताका बरें दिसतालें. अशें घडून लोक खवळल्याबगर राज्यक्रांती जावचिना हें ताका खबर आशिल्लें. तो आनी ताजी बायल जाता तितलें बेगीन राज्यक्रांती जावंची हे खातीर वावुरतालीं - लोकांक खवळावन घालतालीं.

एक दीस एव्हरमॉंड आपल्या चुलत्याक मेळपाक फ्रान्सांत आयिल्लो. सदां भशेन ताणें काकाक शिटकायलो. भायर लोक अन्नाविणें कशे वळवळटात तें सांगलें. असले परिस्थितींत आपणाक भाटकार म्हणून घेवपाक लज दिसता आनी आपूण एकटोच वांटेकार आशिल्ल्यान ताचे फाटल्यान ताणें सगळी इस्टेट आपल्या नांवार केल्ली जाल्यारय आपूण ती केन्नाच भोगचोना म्हणपाचेंय नेट दिवन सांगलें. पूण मार्क्विस फकत हांसलो आनी तागेलें पोटतिडकीचें उलवप मनार घेनासतना न्हिदूंक गेलो.

दुसऱ्या दिसा सुर्याच्या उदेवाबरावर गांवांत एक खबर पातळ्ळी: "मार्क्विसाचो खून जालो."

कोणेतरी सुरो तोपून ताचो खून केल्लो. सुऱ्याचे मुठीक एक कागदाचो चिटारो बांदिल्लो, आनी ताचेर बरयल्लें -

"हिसपाभायर ताकतिकेन हाच्या प्रेताची गाडी मसंडींत पावयात." सकयल जोन्स अशी सय आशिल्ली.

तो जोन्स म्हळ्यार पयल्या दिसा मार्क्विसान गाडयेमुळा चिडिल्ल्या भुरग्याचो बापूय आशिल्लो. मार्क्विसाच्याच गाडयेमुळा हुमकळून गांवांत येतना लोकांनी ताका पळेल्लो.

शिपायांनी रोकडोच जोन्साक धरून हाडलो आनी गोळाक लायलो.

आपल्या काकाच्या मरणापरसूय जोन्साच्या मरणाचें डार्नेक चड दूख जालें. चुलत्याच्या मरणाच्यो सगळ्यो विधी जातकच इस्टेटीची व्यवस्था कारभाऱ्याकडे सोंपोवन तो इंग्लंडाक परतलो. फ्रेंच भाशा शिकपी भुरगे थंय ताची वाट पळेताले.

डॉ. मॅलेटानी मान्यताय दितकच ताचें आनी ल्युसीचें रोकडेंच लग्न जालें. तांकां एक सोबीतशें चलीय जालें. तिचें नांव ताणीं ल्हान ल्युसी अशें दवरलें. करिन तांगेर येतालो आनी ल्हान ल्युसीकडेन खेळटालो. तिचें आनी ताचें बरें मेतकूट जमिल्लें. दोगांकूय एकमेकां बगर करमनाशिल्लें.

दीस धांवताले, आनी एक दीस दार्फाजाच्या कल्पनेतली क्रांतीची फांतोड उजवाडली. फ्रांन्सांत क्रांती जाली. दार्फाजाच्या बारांतल्यान शस्त्रां आनी दारूगुळो भायर येतालो आनी तो घेवन खुबळलेले लोक शाराचे दिकेन धांवताले.

सोळाव्या लुईक ताणीं सोंपयलो, सावकारांक आनी भाटकारांक कातरले. सरकारी अधिकाऱ्यांक गोळाक लायले आनी शिपायांक गुळयो घाल्यो. फाटल्या सरकाराकडे जांचें बरेंपण आशिल्लें त्या सगळ्यांक वेंचून काडून ताणीं काबार केले आनी बंदखणींतल्या बंद्यांक सोडून घाले.

मार्क्विसाचो वाडो लुटलो आनी मागीर ताका उजो घालो. डार्नेलो कारभारी लिपून रावलो म्हणून वाटावलो. ताणें लिपचोरयां डार्नेक एक चीट बरयली आनी आपली थंयसून सोडणूक करपाक कळयलें.

कारभाऱ्याली चीट मेळ्ळी तसो रोकडोच येतां अशें ल्युसीक सांगून आनी ल्हान ल्युसीची पापी घेवन, डार्ने फ्रान्सांक गेलो. फ्रान्सांत क्रांती जाल्या इतलेंच ताका खबर आशिल्लें. पूण तिचें खरें रूप ताका कळूंक नाशिल्लें.

शेंकड्यांनी वर्सां सत्ताधाऱ्यांच्या शेकातळा चिड्डून आशिल्ली फ्रान्साची जनता, आतां मुक्त जाल्ली. मुक्ततायेच्या खोशयेंत ती सारासार विचार विसरल्ली. न्याय-अन्यायाविशीं येवजपाक तिका वेळ नाशिल्लो. दार्फाजाल्या वारयार उदकाभशेन व्हांवतल्या सोऱ्यांत लोकांचे आशिल्लें नाशिल्लें विचारांचें बळ पुरायतेन बुडून गेल्लें. थंयच्यो बंदखणी आतां नव्या बंद्यांनी भरल्ल्यो. त्या बंद्यांनी कितें गुन्यांव केला हें मात कोणाकूच खबर नाशिल्लें.

एव्हरमाँड डार्ने हो मार्क्विसाचो पुतणयो ही गजाल दार्फाजाक खबर आशिल्ली. तो आपल्या कारभाऱ्याक वाटावंक आयला म्हणपाचें कळ्ळें तेन्ना ताका आनी ताचे बायलेक आपलो सोपूत खरो करपाची संद मेळ्ळी म्हणून खोशी जाली. मार्क्विस कुटूंब ना करपाक आशिल्ल्या त्या दोगांनीय ताचेर राष्ट्रद्रोहाचो आरोप घालो आनी ताका बंदखणींत उडयलो.

एव्हरमाँडाचो बापूय आनी बापोलयो हे दोगूय भाव दुश्ट आशिल्ले. दुर्बळांचेर अत्याचार, आनी तांच्या बायलांचेर बलात्कार करतना, तांच्या मनांक इल्लीय खंत जायनाशिल्ली. ताणीं एकदां एका कुळब्याच्या बायलेक उबारून व्हेली आनी तिचेर अत्याचार केलो. तिगेल्या घोवान ताका आडखळ केली म्हणून ताका ताणीं येतिश्ट बडयलो आनी एके कुडींत बंद करून दवरलो. ताका अन्नपाणी दिनासतना ताणीं वळवळावन माल्लो. अत्याचार सोसूंक नज जावन ती बायल हातरूणा भरवण जाली. ती सामकी मरणांक तेंकली तेन्ना तांणी डॉ. मॅलेटाक व्हेलो. अत्याचाराक लागून तीं मरूंक पावल्या म्हणपाचें डॉक्टराक कळ्ळें. ताणी तिका वखद दिलें पूण चड उशीर जाल्ल्यान तें वखद लागू पडलेंना आनी तीं मेली.

डॉ. मॅलेटानी ही गजाल कोणाक सांगची न्हय म्हणून मार्क्विसान तांकां पयशांची पोटली दिवची केली पूण ताणीं ती घेतलीना. आनी

घरमंत्र्याच्या नांवान ती सगळी गजाल बरोवन एक चीट धाडली. तांच्या पाळटेर आशिल्ल्या मार्क्विस भावांनी ती चीट मदल्या मर्दी सांपडायली आनी तांकां बुद्द शिकोवपाखातीर राष्ट्रद्रोहाचो फटीचो आळ घालून तांकां बंदखणींत उडयले. थंय तांचो खूप छळ जालो.

वीस वर्सां बंदखण भोगून थतरवितर अवस्तेंत ते भायर आयले तेन्ना दार्फाज घोवा-बायलेन तांकां आपणागेर व्हरून एके माळयेर दवल्ले थंयसून मागीर जेर्वीस लॉरीन तांकां इग्लंडाक व्हेल्ले.

जे बायलेक मार्क्विस भावांनी उबारून व्हेल्ली ती दार्फाजाची मेवणी आशिल्ली. ती मेली तेन्नाच दार्फाज घोवाबायलेन सगळें मार्क्विस कुटूंब ना करपाचो सोपूत घेतिल्लो आनी म्हणून एव्हरमाँडाक ताणीं बंदखणींत उडयल्लो.

ती गजाल कळनाफुडें डॉ. मॅलेट ल्युसीक घेवन फ्रान्सांत आयले. कोर्टांत खटलो उबो रावलो तेन्ना एव्हरमाँडान, 'आपणें कसलोच राष्ट्रद्रोह करूंक ना आनी राज्यक्रांतीक आपलो तेंकोच आसा' म्हणपाचें कोर्टाक सांगलें. डॉ. मॅलेटानीय तो राष्ट्रद्रोही न्हय म्हणपाची गवाय दिली.

डॉ. मॅलेट हे वीस वर्सां अन्यायान बंदखण भोगिल्ले मनीस म्हणून फ्रान्सांत तांचेविशीं सगळ्यांक आदर आशिल्लो. तांची गवाय खरी मानून कोर्टान डार्नेक मेकळो केलो. पूण ताका ना करपाचो सोपूत घेतिल्ल्या दार्फाज घोवा-बायलेक मात तें आवडलेंना. ताका मरणाची ख्यास्त दिवंकूच जाय अशें थारावन ताणीं आनीक एक कारस्थान रचलें. डॉ. मॅलेट बंदखणींत आसतना ताणीं थंयच्या पांच नंबरच्या बुरजांत मार्क्विस कुटूंबाक राष्ट्रद्रोही थारावपी कांय कागदां लिपोवन दवरल्यांत हें दार्फाजाक खबर आशिल्लें. ताणें बंदखणींत वचून ते कागद हाडले आनी डार्नेचेर तो मार्क्विस कुटूंबातलो मनीस म्हणून परतून एकदां कोर्टांत खटलो भरलो. डॉ. मॅलेटानी डार्नेक वाटोवंचो न्हय म्हणून राष्ट्रद्रोही

मनशाक आदार दिवपी मनशाकय राष्ट्रद्रोही थारावंचो अशें ताणें कोर्टाकडे मागलें.

दार्फाज हो एका वेळावयलो डॉ. मॅलेटालो मानाय आशिल्लो. ताणीं ताका बरेतरेन पाळिल्लो. पूण आज तो सुडान पेटिल्लो आनी एका वेळावयल्या आपल्या अन्नदात्याक लेगीत विसरलेलो.

नव्या खटल्याच्या वेळार मॅलेटाक कितेंच करप शक्य जालेंना. आनी कोर्टान एव्हरमाँड डार्नेक मरणाची ख्यास्त फर्मायली. ती ख्यास्त कानार पडनाफुडें ल्युसी मॅलेट घुंवळ येवन पडली. तिच्या म्हऱ्यांत खटलो आयकूंक बशिल्ल्या कार्टनान तिका अळंग उबाल्ली आनी तिका घेवन तो घराकडे आयलो.

उदक मारून आनी वारो घालून ताणें तिका सावशीक केली.तिच्या कपलाचो मायेन उमो घेतलो आनी तिच्या कानाकडे तोंड व्हरून ताणें

म्हळें, “म्हज्या मोगाच्या ल्युसी, तूं भियेंव नाका! तुजो हो भाव तुज्या डार्नेक ह्या संकश्टांतल्यान सोडयल्याबगर रावचोना.”

कोर्टान डार्नेक फर्मायिल्ली ख्यास्त आयकून सगळेच निर्शेल्ले. निर्शेवंक नाशिल्लो एकटोच कार्टन. ताचे तकलेंत एक येवजण घोळटाली. इंग्लंडाक डार्नेचेर खटलो चलतालो तेन्ना त्या दोगांच्याय चेऱ्यांतल्या सारकेपणाक लागून गवायदार गोंदळलेलो आनी डार्ने सुटिल्लो. त्या चेऱ्यांतल्या सारकेपणाचेरूच तागेली येवजण आदारून आशिल्ली.

ताणें बरसाड नावाच्या बंदखणीच्या एका राखणदाराक पयशे खावोवन आपले वाटेन घुंवडायलो आनी येवजिल्ल्या बेताक ताचो आदार मागलो. बरसाडाक आपणाचेर कसलेंच किजील येनासतना डार्ने सुटल्यार जायच आशिल्लो. ताचेर कसलेंच किजील येवचेना हाची कार्टनान ताका हमी दिली.

बंद्यांक मारूंक व्हरपाच्या एक वर पयलीं तो डार्नेच्या कुडांत गेलो. उलयतां उलयतां ताणें एक वखद डार्नेक हुंगयले आनी ताका बेसुद्द केलो. रोकडेच ताणें ताचे कपडे उतरायले आनी आपले कपडे ताच्या आंगार चडयले. तागेले कपडे घालून तो आपूण डार्ने जालो. तागेल्या केसांचो लांस ताणें आपल्या केंसांक बांदलो आनी कार्टन केल्ल्या डार्नेक बरसाडच्या आदारान तागेल्या कुटूंबात पावोवपाची वेवस्ता केली.

डार्नेच्या फुड्यांत वचचेपयलीं ताणें जेर्वीस लॉरीक घोड्यांची गाडी तयार दवरूंक सांगिल्ली आनी डार्ने तागेल्या कुटूंबांत पावनाफुडें गाडी इंग्लंडावाटेन धांवडावपाचें तांचेकडल्यान उतर घेतिल्लें. आपलो पासपोर्ट ताणें डार्ने खातीर तांचेकडे दिल्लो.

डार्नेक गाडयेंत दवरिनाफुडें गाडी इंग्लंडावाटेन धावूंक लागली. डार्ने अजून सामको शाबुद्दीर येवंक नाशिल्लो. ताची तकली ल्युसीन आपल्या हड्ड्याकडे घट्ट धरली. तिच्या दोळ्यांतल्यान खोशयेच्या

दुखांच्यो धारो व्हांवताल्यो. कार्टनान ताका सोडयलो म्हणून ताचेविशींचे कृतज्ञतेन तिचें आनी बाकीच्यांचीय अंतस्करणां भरून आयिल्लीं. पूण ताणें ताका कसो सोडयलो हें मात कोणाकूच खबर नाशिल्लें.

एकट्या एव्हरमाँडाक ख्यास्त भोगोवन दार्फाज घोवाबायलेचें समादान जालेंना म्हणून मादाम दार्फाज हातांत पिस्तूल घेवन ल्युसीक मारपाक तिगेल्या बिराडार गेली. थंय मिस. प्रोसान तिका आडायली तशी दोगांचीय लटाफट जाली. तातूंत मादाम दार्फाजाच्या पिस्तुलांतली गुळी तिची तिकाच लागली आनी ती मेली. प्रोसान तिचें प्रेत एके कुडींत धुकळ्ळें आनी दाराक कुलप लावन घरच्या मानायाबराबर ती इंग्लंडाक वचपाक गेली.

बळी दिवपाचो वेळ जालो तशे बंद्यांनी भरिल्ले खटारे, मरणाचे वेदीवाटेन वचूंक लागले. थंय गंमत पळोवंक जमिल्ले दादले आनी बायलो गिलोटिनाचेर मान दवरूंक वतल्या बंद्यांक एकदोन करून मेजताल्यो.

एव्हरमाँडाचो नंबर आयलो तसो ताणीं तो मोठ्यान मेजलो.

"तेवीस!"

एव्हरमाँड डार्नेच्या भेसांतलो कार्टन तायट मानेन गिलोटीना म्हऱ्यांत गेलो आनी शांत चित्तान ताणें मरणाक येवकार दिलो. मरतना ताच्या दोळ्यामुखार उबी आशिल्ली ल्युसी मॅलेटाची मूर्त.. डार्ने जिवानिशीं परतून आयिल्ल्याचे खोशयेंत आंगभर भिजिल्ली.... तिचेकडे पळेतना तो विसल्लो मरणकाळांतल्यो सगळ्यो यातना आनी केळलें ताच्या चेऱ्यार एक म्होवाळ हाशें खोशयेचें.

***

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
895

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE : माणकां - मोतयां
(भुरग्यांखातीर काणयों)

शीनाथ

बिम्ब

WORLD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

Acc. No. ______________

1. Books lost, torn, defaced, marked or damaged in any way shall have to be replaced by the borrower.
2. Books issued can be recalled at any time, if necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

नरेंद्र काशिनाथ कामत

जल्म १४ जून १९३४ सालांत मडकाय गांवांत. मेट्रीक मेरेन शिक्षण. 'पारजत फुलां' आनी 'देवाची करणी' अशीं दोन पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत. आकाशवाणी पणजी केंद्रावेल्यान पांच नाटकांचें प्रसारण जालां, तशेंच विनोदी आनी हेर स्वरुपाचीं धा–बारा उलोवपां वितरायल्यांत. 'जाग' म्हयनाळें आनीं 'सुनापरान्त' दिसाळ्यांतल्यान विदेशी नवलिकांचे आणकार प्रसिद्ध जाल्यात. मराठी आनी कोंकणीतल्यान ललीत लेखन केलां.